कर्नाटक सर्कार

येया, कोंकणी शिकुंया – २

10 वे वर्गाक

कोंकणी तीसरी भास पाठ पुस्तक

भाग – 1

10th Std. Konkani Third Language
Text Book

Karnataka Textbook Society (R.)
6th Cross, Malleshwaram
Bangalore - 560 003.

Preface

The Textbook Society, Karnataka has been engaged in producing new textbooks according to the new syllabi which in turn are designed on NCF – 2005 since June 2010. Textbooks are prepared in 12 languages; seven of them serve as the media of instruction. From standard 1 to 4 there is the EVS, mathematics and 5th to 10th there are three core subjects namely mathematics, science and social science.

NCF – 2005 has a number of special features and they are:

- connecting knowledge to life activities.
- learning to shift from rote methods.
- enriching the curriculum beyond textbooks.
- learning experiences for the construction of knowledge.
- making examinations flexible and integrating them with classroom experiences.
- caring concerns within the democratic policy of the country.
- making education relevant to the present and future needs.
- softening the subject boundaries- integrated knowledge and the joy of learning.
- the child is the constructor of knowledge.

The new books are produced based on three fundamental approaches namely.

Constructive approach, Spiral Approach and Integrated approach.

The learner is encouraged to think, engage in activities, master skills and competencies. The materials presented in these books are integrated with values. The new books are not examination oriented in their nature. On the other hand they help the learner in the all round development of his/her personality, thus help him/her become a healthy member of a healthy society and a productive citizen of this great country, India.

The most important objectives of teaching language are listening, speaking, reading, writing and reference work. These skills have been given a lot of importance in all the language textbooks. Along with the inculcation of these skills, fundamental grammar, opportunities for learners to appreciate beauty and imbibe universal life values have been integrated in language textbooks. When learners master these competencies, they would stop studying textbooks for the sake of passing examinations. In order to help learners master these

competencies, a number of paired and group activities, assignments and project work have been included in the textbooks. It is expected that these activities would help learner master communicative skills. Ultimately, it is expected that students master the art of learning to learn and make use of these competencies in real life.

The Textbook Society expresses grateful thanks to the chairpersons, writers, scrutinisers, artists, staff of DIETs and CTEs and the members of the Editorial Board and printers in helping the Text Book Society in producing these textbooks. A few works of some writers and poets have been included in these textbooks. The textbook society is extremely grateful to them for giving their consent for the inclusion of these pieces in the textbooks.

Nagendra Kumar
Managing Director
Karnataka Textbook Society®
Bangalore, Karnataka

Prof G S Mudambadithaya
Coordinator
Curriculum Revision and Textbook Preparation
Karnataka Textbook Society®
Bangalore, Karnataka

ಪರಿಷ್ಕರಣೆ ಕುರಿತು

ಒಂದರಿಂದ ಹತ್ತನೇ ತರಗತಿಯ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳ ಬಗ್ಗೆ ಪ್ರಕಟಗೊಂಡ ಸಾರ್ವಜನಿಕ ಅಭಿಪ್ರಾಯಗಳನ್ನು ಗಮನಿಸಿ ಮಾನ್ಯ ಮುಖ್ಯಮಂತ್ರಿಯವರೂ ಅರ್ಥಸಚಿವರೂ ಆಗಿರುವ ಶ್ರೀ ಸಿದ್ದರಾಮಯ್ಯನವರು ತಮ್ಮ 2014–15 ರ ಬಜೆಟ್‌ನಲ್ಲಿ ತಜ್ಞರ ಸಮಿತಿಯನ್ನು ರಚಿಸುವ ಘೋಷಣೆ ಮಾಡಿದರು. ತಜ್ಞರು ಅನುಸರಿಸಬೇಕಾದ ಮೂಲ ಆಶಯವನ್ನು ಹೀಗೆ ಹೇಳಿದರು : "ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳನ್ನು ಸಾಮಾಜಿಕ ಸಾಮರಸ್ಯ, ನೈತಿಕಮೌಲ್ಯಗಳು, ವ್ಯಕ್ತಿತ್ವವಿಕಸನ, ವೈಜ್ಞಾನಿಕ ಮತ್ತು ವೈಚಾರಿಕ ಮನೋಭಾವ, ಜಾತ್ಯತೀತತೆ ಮತ್ತು ರಾಷ್ಟ್ರೀಯ ಬದ್ಧತೆಗಳಿಗೆ ಅನುವಾಗುವಂತೆ ತಜ್ಞರ ಸಮಿತಿಯನ್ನು ಪುನರ್ ರಚಿಸಲಾಗುವುದು" – ಇದು ಬಜೆಟ್ ಭಾಷಣದಲ್ಲಿ ಸಾದರಪಡಿಸಿದ ಆಶಯ.

ಆನಂತರ ಶಿಕ್ಷಣ ಇಲಾಖೆಯು ಒಂದರಿಂದ ಹತ್ತನೇ ತರಗತಿಯವರೆಗಿನ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳ ಪರಿಷ್ಕರಣೆಗಾಗಿ 27 ಸಮಿತಿಗಳನ್ನು ರಚಿಸಿ ದಿನಾಂಕ: 24.11.2014 ರಂದು ಆದೇಶ ಹೊರಡಿಸಿತು. ಈ ಸಮಿತಿಗಳು ವಿಷಯವಾರು ಮತ್ತು ತರಗತಿವಾರು ಮಾನದಂಡಕ್ಕನುಗುಣವಾಗಿ ರಚಿತವಾದವು. ವಿವಿಧ ಪಠ್ಯವಿಷಯಗಳಿಗೆ ಸಂಬಂಧಿಸಿದ ತಜ್ಞರು, ಅಧ್ಯಾಪಕರು ಈ ಸಮಿತಿಗಳಲ್ಲಿದ್ದಾರೆ. ಈಗಾಗಲೇ ಲಿಖಿತವಾಗಿ ಬಂದಿರುವ ಅನೇಕ ಆಕ್ಷೇಪಗಳು ಮತ್ತು ವಿಶ್ಲೇಷಣೆಗಳನ್ನು ಪರಿಶೀಲಿಸಿ, ತಪ್ಪು ಒಪ್ಪುಗಳ ಬಗ್ಗೆ ನಿರ್ಣಯಿಸಿ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳನ್ನು ಪರಿಷ್ಕರಿಸುವ ಹೊಣೆಹೊತ್ತ ಈ ಸಮಿತಿಗಳಿಗೆ 'ಅಗತ್ಯವಿದ್ದಲ್ಲಿ ಪಠ್ಯವಸ್ತುವನ್ನು ಪರಿಷ್ಕರಿಸಿ ನಂತರ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳನ್ನು ಪರಿಷ್ಕರಿಸುವ' ಸ್ವಾತಂತ್ರ್ಯವನ್ನು 24.11.2014ರ ಆದೇಶದಲ್ಲೇ ನೀಡಲಾಗಿತ್ತು. ಆನಂತರ 19.09.2015 ರಂದು ಹೊಸ ಆದೇಶ ಹೊರಡಿಸಿ 'ಅಗತ್ಯವಿದ್ದಲ್ಲಿ ಪುನರ್ ರಚಿಸುವ' ಸ್ವಾತಂತ್ರ್ಯವನ್ನು ನೀಡಲಾಯಿತು. ಹೀಗೆ ಸಮಗ್ರ ಪರಿಷ್ಕರಣೆಗೊಂಡ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳನ್ನು 2016–17 ರ ಬದಲು 2017–18ನೇ ಶೈಕ್ಷಣಿಕ ವರ್ಷದಲ್ಲಿ ಜಾರಿಗೊಳಿಸ ಲಾಗುವುದೆಂದು ಇದೇ ಆದೇಶದಲ್ಲಿ ತಿಳಿಸಲಾಯಿತು.

ಅನೇಕ ವ್ಯಕ್ತಿಗಳೂ ಸಂಘಟನೆಗಳೂ ಸ್ವಯಂಪ್ರೇರಿತರಾಗಿ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳ ಮಾಹಿತಿದೋಷ, ಆಶಯದೋಷಗಳನ್ನು ಪಟ್ಟಿಮಾಡಿ ಶಿಕ್ಷಣ ಸಚಿವರಿಗೆ, ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕ ಸಂಘಕ್ಕೆ ಕಳುಹಿಸಿದ್ದರು. ಅವುಗಳ ಪರಿಶೀಲನೆಮಾಡಿದ್ದಲ್ಲದೆ, ಸಮಿತಿಗಳಾಚೆಗೆ ಅನೇಕ ಸಂವಾದಗಳನ್ನು ಏರ್ಪಡಿಸಿ ವಿಚಾರ ವಿನಿಮಯ ಮಾಡಿಕೊಂಡಿದ್ದೇವೆ. ಪ್ರಾಥಮಿಕ ಮತ್ತು ಪ್ರೌಢಶಾಲಾ ಅಧ್ಯಾಪಕರ ಸಂಘಗಳ

ಜೊತೆ ಚರ್ಚಿಸಿದ್ದಲ್ಲದೆ ಪ್ರಶ್ನಾವಳಿ ಸಿದ್ಧಪಡಿಸಿ ಅಧ್ಯಾಪಕರಿಗೆ ಕಳಿಸಿ ಅಭಿಪ್ರಾಯಗಳನ್ನು ಸಂಗ್ರಹಿಸಲಾಗಿದೆ. ಅಧ್ಯಾಪಕರು, ವಿಷಯಪರಿವೀಕ್ಷಕರು ಮತ್ತು ಡಯಟ್ ಪ್ರಾಂಶುಪಾಲರ ಪ್ರತ್ಯೇಕ ಸಭೆಗಳನ್ನು ನಡೆಸಿ ವಿಶ್ಲೇಷಣಾತ್ಮಕ ಅಭಿಮತಗಳನ್ನು ಪಡೆಯಲಾಗಿದೆ. ವಿಜ್ಞಾನ, ಸಮಾಜವಿಜ್ಞಾನ, ಗಣಿತ, ಭಾಷೆ ಸಾಹಿತ್ಯಗಳಿಗೆ ಸಂಬಂಧಿಸಿದ ತಜ್ಞರಿಗೆ ಮೊದಲೇ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳನ್ನು ಕಳುಹಿಸಿ ಆನಂತರ ಸಭೆ ನಡೆಸಿ ಚರ್ಚಿಸಲಾಗಿದೆ. ಮಹಿಳಾ ಸಂಘಟನೆ ಹಾಗೂ ವಿಜ್ಞಾನ ಸಂಬಂಧಿ ಸಂಸ್ಥೆಗಳನ್ನು ಆಹ್ವಾನಿಸಿ ಚಿಂತನೆ ನಡೆಸಲಾಗಿದೆ. ಹೀಗೆ ಎಲ್ಲಾ ಮೂಲಗಳಿಂದ ಪಡೆದ ಅರಿವಿನ ಆಧಾರದ ಮೇಲೆ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳನ್ನು ಅಗತ್ಯವಿದ್ದಕಡೆ ಪರಿಷ್ಕರಿಸಲಾಗಿದೆ.

ಬಹುಮುಖ್ಯವಾದ ಇನ್ನೊಂದು ಸಂಗತಿಯನ್ನು ಇಲ್ಲಿ ಹೇಳಬೇಕು. ಕೇಂದ್ರೀಯ ಶಾಲಾ (N.C.E.R.T) ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳ ಜೊತೆ ರಾಜ್ಯದ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳನ್ನು ತೌಲನಿಕವಾಗಿ ಅಧ್ಯಯನ ಮಾಡಿ ಸಲಹೆಗಳನ್ನು ನೀಡಲು ವಿಜ್ಞಾನ, ಗಣಿತ ಮತ್ತು ಸಮಾಜವಿಜ್ಞಾನಕ್ಕೆ ಸಂಬಂಧಿಸಿದಂತೆ ತಜ್ಞರ ಮೂರು ಸಮಿತಿಗಳನ್ನು ರಚಿಸಲಾಯಿತು. ಈ ಸಮಿತಿಗಳು ನೀಡಿದ ತೌಲನಿಕ ವಿಶ್ಲೇಷಣೆ ಮತ್ತು ಸಲಹೆಗಳನ್ನು ಆಧರಿಸಿ ರಾಜ್ಯ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳ ಗುಣಮಟ್ಟವನ್ನು ಹೆಚ್ಚಿಸಲಾಗಿದೆ. ಕೇಂದ್ರೀಯ ಶಾಲಾ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳಿಗಿಂತ ನಮ್ಮ ರಾಜ್ಯದ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳ ಗುಣಮಟ್ಟ ಕಡಿಮೆಯಾಗದಂತೆ ಕಾಯ್ದುಕೊಳ್ಳಲಾಗಿದೆ. ಜೊತೆಗೆ ಆಂಧ್ರ, ತಮಿಳುನಾಡು, ಮಹಾರಾಷ್ಟ್ರಗಳ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳ ಜೊತೆ ನಮ್ಮ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳನ್ನು ಪರಿಶೀಲಿಸಲಾಗಿದೆ.

ಇನ್ನೊಂದು ಸ್ಪಷ್ಟನೆಯನ್ನು ನೀಡಲು ಬಯಸುತ್ತೇನೆ. ನಮ್ಮ ಸಮಿತಿಗಳು ಮಾಡಿರುವುದು ಪರಿಷ್ಕರಣೆಯೇ ಹೊರತು ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳ ಸಮಗ್ರ ರಚನೆಯಲ್ಲ. ಆದ್ದರಿಂದ ಈಗಾಗಲೇ ರಚಿತವಾಗಿರುವ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕಗಳ ಸ್ವರೂಪಕ್ಕೆ ಎಲ್ಲಿಯೂ ಧಕ್ಕೆಯುಂಟುಮಾಡಿಲ್ಲ. ಲಿಂಗತ್ವ ಸಮಾನತೆ, ಪ್ರಾದೇಶಿಕ ಪ್ರಾತಿನಿಧ್ಯ, ರಾಷ್ಟ್ರೀಯ ಸಮಗ್ರತೆ, ಸಮಾನತೆ, ಸಾಮಾಜಿಕ ಸಾಮರಸ್ಯಗಳ ಹಿನ್ನೆಲೆಯಲ್ಲಿ ಕೆಲವು ಪರಿಷ್ಕರಣೆಗಳು ನಡೆದಿವೆ. ಹೀಗೆ ಪರಿಷ್ಕರಿಸುವಾಗ ರಾಷ್ಟ್ರೀಯ ಪಠ್ಯಕ್ರಮ ಚೌಕಟ್ಟು ಮತ್ತು ರಾಜ್ಯ ಪಠ್ಯಕ್ರಮ ಚೌಕಟ್ಟುಗಳನ್ನು ಮೀರಿಲ್ಲವೆಂದು ತಿಳಿಸಬಯಸುತ್ತೇನೆ: ಜೊತೆಗೆ ನಮ್ಮ ಸಂವಿಧಾನದ ಆಶಯಗಳನ್ನು ಅನುಸರಿಸಲಾಗಿದೆ. ಸಮಿತಿಗಳು ಮಾಡಿದ ಪರಿಷ್ಕರಣೆಯನ್ನು ಮತ್ತೊಮ್ಮೆ ಪರಿಶೀಲಿಸಲು ವಿಷಯವಾರು ಉನ್ನತ ಪರಿಶೀಲನ ಸಮಿತಿಗಳನ್ನು ರಚಿಸಿ ಅಭಿಪ್ರಾಯಪಡೆದು ಅಳವಡಿಸಲಾಗಿದೆ.

ಹೀಗೆ ಕ್ರಮಬದ್ಧವಾಗಿ ನಡೆದ ಕೆಲಸಕ್ಕೆ ತಮ್ಮನ್ನು ತಾವು ಸಂಪೂರ್ಣ ತೊಡಗಿಸಿಕೊಂಡ 27 ಸಮಿತಿಗಳ ಅಧ್ಯಕ್ಷರು ಮತ್ತು ಸದಸ್ಯರನ್ನು ಹಾಗೂ ಉನ್ನತ ಪರಿಶೀಲನಾ ಸಮಿತಿಯ ಸಮಸ್ತರನ್ನು ಕೃತಜ್ಞತೆಯಿಂದ ನೆನೆಯುತ್ತೇವೆ. ಅಂತೆಯೇ ಸಮಿತಿಗಳ ಕೆಲಸ ಸುಗಮವಾಗಿ ನಡೆಯುವಂತೆ ವ್ಯವಸ್ಥೆಮಾಡಲು ಕಾರ್ಯಕ್ರಮ ಅಧಿಕಾರಿಗಳಾಗಿ ನಿಷ್ಠೆಯಿಂದ ದುಡಿದ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕ ಸಂಘದ ಎಲ್ಲಾ ಅಧಿಕಾರಿಗಳನ್ನೂ ನೆನೆಯುತ್ತೇವೆ. ಸಹಕರಿಸಿದ ಸಿಬ್ಬಂದಿಗೂ ನಮ್ಮ ವಂದನೆಗಳು. ಅಭಿಪ್ರಾಯ ನೀಡಿ ಸಹಕರಿಸಿದ ಸರ್ವ ಸಂಘಟನೆಗಳು ಮತ್ತು ತಜ್ಞರಿಗೆ ಧನ್ಯವಾದಗಳು.

(ಎಂ. ಪಿ. ಮಾದೇಗೌಡ)
ವ್ಯವಸ್ಥಾಪಕ ನಿರ್ದೇಶಕರು
ಕರ್ನಾಟಕ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕ ಸಂಘ (ರಿ.)
ಬೆಂಗಳೂರು.

(ಪ್ರೊ. ಬರಗೂರು ರಾಮಚಂದ್ರಪ್ಪ)
ಸರ್ವಾಧ್ಯಕ್ಷರು
ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕ ಪರಿಷ್ಕರಣ ಸಮಿತಿ
ಕರ್ನಾಟಕ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕ ಸಂಘ (ರಿ.)
ಬೆಂಗಳೂರು.

प्रस्तावन

धावे क्लाशिंत कोंकणी तिसरी भास जावन शिकच्या भुरग्यांक कोंकणी भाशेचो, साहित्याचो मोग वाडोंवचो, कोंकणिच्या बरपी साहित्या विशीं, लोकवेदा विशीं अभिमान चडोंवचो, मनशा हक्कां, परिसर, लिंग– समानता, स्व–गौरव वाडोंवचो ह्या पुसतकाचे मूळ उद्देश. सांगाताच कोंकणी भास उलोंवची आनी बरोंवची तांक वाडोवंक आधार जायशें पाठपुसतक तयार केला. हाका आधार जायशें अभ्यास, पूरक वाचप, नियोजीत वावर दिला. फकत परिक्षेंत अंक जोडचो उद्देश बगलेन दवरन, वयर दिल्ले उद्देश सुफळ जायशें शिक्षक/शिक्षकी, भुर्ग्यांक पाठ शिकयतलीं म्हळ्ळो भर्वसो म्हाका आसा.

हें पाठपुसतक धावी क्लास पाठ समितिच्या सांद्यांच्या प्रयत्नाचो फळ. सर्व सांद्यांक हांव देव बरें करूं म्हणतां.

–डा। जेरालड पिंटो
अध्यक्श

Foreword

In the pursuit of fostering a healthier and more balanced educational journey, we present this initiative aimed at reducing the weight of school bags. Education is the cornerstone of progress and it is our responsibility to ensure that the pursuit of knowledge is accompanied by the wellbeing of students.

As a first step, to reduce the burden of heavy bags, the School Education Department, Government of Karnataka has decided to print semester-wise textbooks in 2 parts i.e., Summative Assessment 1 and 2. This intervention will help significantly in reducing the weight of school bags.

This Endeavour signifies a paradigm shift, acknowledging the strain posed by bulky bags on students.

Manjushree. N. IAS
Managing Director
Karnataka Textbook Society (R.)

Textbook Committee

President:
Dr Gerald Pinto, Milagres College, Santhekatte, Kallianpur, Udupi

Members:
Sri Frank Hilary D'Souza, Pompai High School, Urwa, Mangaluru
Sr. Annie Crasta, Nithyadhar High School, Nithyadhar Nagar, Mangaluru
Smt. Mary D'Silva, Lisha Villa, Naguri Majal, Kankanadi, Mangaluru

Transcript: Smt. Suchitra Shenoy, Canara High School, Urwa, Mangaluru
Scrutiniser: Fr. Valerian Fernandes, Bishop's House, Mangaluru
Artist: Sri Wilson J.P. D'Souza, J.P. Nivas, Kayyar, Via Uppala, Kasaragod

Co-ordination Committee:
Sri Roy Castelino, President, Karnataka Konkani Sahitya Academy, Mangaluru
Dr B. Devadasa Pai, Registrar, Karnataka Konkani Sahitya Academy, Mangaluru
Sri Lawrence D'Souza, President, Konkani Prachar Sanchalan, Mangaluru
Dr K. Mohan Pai, Secretary, Karnataka Konkani Lingustic Minority education Society, Mangaluru

Chief Co-ordinator:
Prof G.S. Mudambadithaya,
Co-ordinator, Curriculam revision and textbook preparation, KTBS, Bengaluru

Chief Advisers:
Sri Nagendra Kumar, Managing Director, KTBS, Bengaluru
Smt. C. Nagamani, Dy. Director, KTBS, Bengaluru

Programme Co-ordinator:
Smt M. Bhagyavatamma, ADPI, KTBS, Bengaluru

ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕ ಪರಿಷ್ಕರಣ ಸಮಿತಿಗಳ ವಿವರ

ಸರ್ವಾಧ್ಯಕ್ಷರು

ಪ್ರೊ. ಬರಗೂರು ರಾಮಚಂದ್ರಪ್ಪ,

ರಾಜ್ಯ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕ ಪರಿಷ್ಕರಣ ಸಮಿತಿ,

ಕರ್ನಾಟಕ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕ ಸಂಘ(ರಿ), ಬೆಂಗಳೂರು.

ಪರಿಷ್ಕರಣ ಸಮಿತಿ

ಅಧ್ಯಕ್ಷರು

ಡಾ। ಕಸ್ತೂರಿ ಮೋಹನ್ ಪೈ,

ವಿಷಯತಜ್ಞರು, ಸಿಟಿ ಸೆಂಟರ್, ನವಭಾರತ ವೃತ್ತ,

ಕೊಡಿಯಾಲ್‌ಬೈಲ್, ಮಂಗಳೂರು.

ಸದಸ್ಯರು

ಶ್ರೀ. **ಅಲ್ವಿನ್ ಸಲ್ಡಾನ,** ಸ.ಶಿ, ಕೂಳೂರು ಪ್ರೌಢಶಾಲೆ, ಕೂಳೂರು, ಮಂಗಳೂರು

ಶ್ರೀಮತಿ **ಐರಿನ್ ಸಿಕ್ವೆರಾ,** ಸಂತಾ ಜೊಸೆಫರ ಹಿರಿಯ ಪ್ರಾಥಮಿಕ ಶಾಲೆ, ನಂತೂರು, ಪದವು, ಕೆಲ್ವರಿ.ಮಂಗಳೂರು.

ಶ್ರೀ. **ತೆರೇಸಾ ಪುಟ್ರಾದೊ,** ಸಂತ ಫ್ರಾನ್ಸಿಸ್ ಕ್ಷೇವಿಯರ್ ಪ್ರೌಢಶಾಲೆ, ಉದ್ಯಾವರ, ಉಡುಪಿ ಜಿಲ್ಲೆ.

ಸಲಹೆ ಮತ್ತು ಮಾರ್ಗದರ್ಶನ :

ಶ್ರೀ ಎಂ. ಪಿ. ಮಾದೇಗೌಡ, ವ್ಯವಸ್ಥಾಪಕ ನಿರ್ದೇಶಕರು, ಕರ್ನಾಟಕ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕ ಸಂಘ(ರಿ.), ಬೆಂಗಳೂರು.

ಶ್ರೀಮತಿ **ಎಂ. ಡಿ. ಉಷಾ,** ಉಪನಿರ್ದೇಶಕರು, ಕರ್ನಾಟಕ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕ ಸಂಘ(ರಿ.), ಬೆಂಗಳೂರು.

ಕಾರ್ಯಕ್ರಮ ಸಂಯೋಜಕರು :

ಶ್ರೀ. **ಎಲ್. ಶಂಕರೇಗೌಡ,** ಸಹಾಯಕ ನಿರ್ದೇಶಕರು, ಕರ್ನಾಟಕ ಪಠ್ಯಪುಸ್ತಕ ಸಂಘ(ರಿ.), ಬೆಂಗಳೂರು.

मांडावळ



क्र. सं.		विषय	पानसंको
१.	गद्य –	तेनाली रामाची मडकी	०१
२.	गद्य –	आमच्यो न्हंयो आमची ग्रेस्तकाय	०७
३.	पद्य –	वंदे मातरं	१२
४.	गद्य –	मेल्यांनी रेंव उडयली	१८
५.	पद्य –	नमान तुका आवयपणा	२५
६.	गद्य –	कुदमल रंगराव	२९
७.	गद्य –	एक कप हुनुनी कोफी	३५
८.	पद्य –	आबरांवचें यज्ञदान	४२
९.	गद्य –	सलवणेची जीक	४८

पाठ – १
गद्य

तेनाली रामाली मडकी

Z2M5S7



भुरग्यानो, तुमी तेनालीराम विशीं आयकलांमू? कर्नाटकाचो चक्रवर्ती विजयनगराच्या कृष्णदेवरायाचो आस्थान फोंकणगार तो जावनासलो. ताका विशेस बुद्धांतकाय आनी चतुराय आसल्ली. रायाक खुशाल दवरचें ताचें काम जावनासल्लें. सबार पावटीं रायान चूक निर्धार केल्ले तवळ उपायांनी तो रायाक तिद्वण दितालो. ताची ती बुदवंतकाय आज पर्यांत लोकाच्या उगडासांत आसा.

एक दीस कृष्णदेवरायाचे रायासभेंत हेर तेग पंडितांक आनी तेनालीरामाक सोन्याचें तूक आनी रुप्याच्या तुका विशीं हासून हासून सुरू जाल्लें उलोवणें. कितेंकी चक्रवर्तीक तेनाली रामाचीच चूक दिसली आनी ताच्या उलोवण्यार चक्रवर्तीक कंठाळो आयलो. तेनाली राम तूं म्हजे मुकलो निकळ, आनी मुकार तुवें तुजें तोंड म्हाका दाकोंवचें नाका म्हणून ताणें पर्मायलें.

तक्षण आपली तकली आड घालन चक्रवर्ती मुकलो तेनालीराम चलत रावलो.

तेनालीराम भायर सरन गेलो व्हय. पूण तेनालीराम नासताना रायसभेंत सोभाय आनी रूच चुकून गेली. सकडांक तो नासताना खुशालाय ना म्हळळे परीं भोगलें. चक्रवर्तीक सयत तेनालीराम ना जाल्यार राय सभेंत संतोस उणो जालें भोगून आयलें.

ही खबर तेनालीरामाक पावली. ताकाय चक्रवर्तीक मेळनाशें, ताचे लागीं उलयनाशें करंदाय भोगताली.

अशें आसता एक दीस चक्रवर्तिची सभा चलून आसताना एक मनीस आपली तकली व्हड काळे मडके भितर लिपोवन सभेक आयलो. सकड ह्या मनशाक पळोवन थटक जाले. त्या मनशाच्या हातांत तैकिळ्याचें झाड आसल्लें. सकड एक पावटीं मडकी एक पावटीं तैकुळ्याचें झाड पळोवन अजापले.

तितल्यार चक्रवर्तीन कोण तूं मनशा, तुवें तुजी तकली मडके भितर लिपयल्या कित्याक? म्हणून विचारलें.

तवळ मडके भितरल्यान तेनाली राम 'प्रभू हांव तेनालीराम. हांवे तुमका तोंड दाकोवंक नज म्हणून तुमी फर्मायलां देकून हांव असो आयला म्हणालो. ताचें आयकून सगळी सभा हास्यांनी बुडली. रायाक तेनालीराम रायासभेक आयिल्लें पळोवन व्हड संतोस जालो. ताणें मुखार येवन तेनाली रामाक पोटलून धरलो.

रायसभेच्या एका पंडितान 'तेनाली राम, तुज्या हातांत तैकिळ्याचें झाड कित्याक?' म्हणून विचारलें. तवळ तेनाली रामान 'राया मुखार हांव तृण समान म्हळ्ळें स्पश्ट करुंक हांवे तैकिळ्याचें झाड हाडलें' म्हणालो तो. ताचे बुदवंतकायेक सर्व मेचवले. रायान ताका तीस भांगाराचीं नाणीं इनाम दिलीं.

(श्री कृष्ण देवराय विजयनगराचो चक्रवर्ती. ताचे रायसभेंत नव थिकां (नवरत्न) म्हणजे नव जण पंडीत आसले. तांचे पयकी तेनालीराम एकलो. ताचे बुदवंतकायेच्यो काणियो लोकां मदें नांवाडदीक जाल्यात.)

आशय: बुदवंतकायेन सबार समस्ये परिहार करयेत.

अभ्यास

I. उत्रांचो अर्थ

खुशाल = संतोसभरीत	श्रेश्ट = प्रख्यात	निर्धार = निर्णय
सोनें = भांगार	करंदाय = विरारय	थटक = विस्मीत
तृण समान = तणा सार्कें	चक्रवर्ती = व्हड राय	फर्मायलां = आदेश दिला
थोर = भोव व्हड	बहुवरांट = सळ, हट	

II. विरोध सब्द बरय

१. ना x _____ २. मुकलो x _____

३. नाका x _____ ४. व्हड x _____

५. आयलो x _____ ६. भितर x _____

III. ह्या लिसांवांत 'त' व्यंजनाचे शब्द बरय

दाकल्याक

त – तवळ ता – _____

ति – _____ ती – _____

तु – _____ तू – _____

तृ – _____ ते – _____

तै – _____ तै – _____

तौ – _____ तॊ – _____

IV. रिती सुवात भर

१. तेनालीराम रायसभेचो _____

२. ताची बुद्धंतकाय _____

३. कृष्ण देवराय विजयनगराचो _____

४. तकली व्हड _____ भितर लिपयिली

५. रायान _____ क पोटलून धरलो.

V. एकामेका मेळय

१. उलोवणें	हास्यांनी बुडली
२. म्हजे मुकलो	तैकिळो
३. चक्रवर्तीक मेळनाशें	मडके भितर
४. तकली	करंदाय भोगताती
५. हातांत निकळ	निकळ
६. रायसभा	हासून हासून सुरू जालें

VI. सवालांक जाप दी

१. तेनालीराम कोणाचो आस्थान फोकणांगार?

२. चक्रवर्तीक कोणाच्या उलोवण्याचेर कंठाळो आयलो?

३. कोणा लागीं उलयनाशें तेनालीरामाक करंदाय भोगताली?

४. तेनालीरामाच्या हातांत कितें आसल्लें?

५. तेनालीराम रायसभेक कसो आयलो?

६. रायान तेनालीरामाक कितें इनाम दिलें?

VII. देकी पर्माणें बरय.

दाकल्याक: राय – रायाक – रायांक

मंत्री	–			
पंडीत	–			
फोंकणागार	–			
चक्रवर्ती	–			
देव	–			

VIII. हीं उत्रां कोणें कोणाक सांगलीं

१. 'तूं म्हजे मुकलो निकळ'

२. 'देकून हांव असो आयला'

३. तैकिळ्याचें झाड कित्याक?

IX. घुस्पडललीं वाक्यां सार्कीं कर.

१. मुकलो चक्रवर्ती तेनालीराम चलतच रावलो

२. सकड थटक्क जाले ह्या मनशाक पळोवन

३. उलोवण्यार ताच्या आयलो कंठाळो चक्रवर्तीक

४. आयलो सभेक भितर लिपोवन मडके काळ्या

X. पळे, वाच, समज आनी बरय.

दाकल्याक:ताणें पर्मायलें ताणें पळयलें

तीणें पर्मायलें _____ पळयलें

ताका भोगलें ताचो आब

_____ भोगलें _____ आब

ताका सांगलें _____ सांगलें

ताचे लागीं वच _____ लागीं वच

XI. चार पांच वाक्यांनी जाप बरय

१. तेनालीराम नासता रायसभेंत कितें जालें?

२. रायसभेक पाटीं वचूंक तेनाली रामान केल्लो उपाय कितें?

XII. वाक्यांनी प्रयोग कर

१. तिद्वण दिंवचें

२. फर्मांवचें

३. करंदाय भोगचें

४. अजापचें

XIII. पूरक वाचप आनी चडतीक काम

– विजयनगर साम्राज्या विशीं वाच.

– कृष्णदेवरायाची जिणी वाच.

– तेनालीरामाच्यो काणियो वाच.

– हो पाठ एक नाटकुळो करन खेळून दाकय

पाठ – २
गद्य

आमच्यो न्हंयो आमची ग्रेस्तकाय

H8I1V9



मनशा संसारांत सोभाय भरुंक देवान सबार रितिची व्यवस्था केल्या. गुडे, दोंगर, रूक, झाडां, मोनजाती, सुकणीं–सवजां मनशाची जीण संतोसभरीत करच्याक वावूरतात.

ह्या सर्व व्यवस्थां पयकी न्हंयो परिसराचे वाडावळींत प्रमूख पात्र खेळतात. मनशा जनांगाचे थळावे उदरगतैंत न्हंयांक प्रमुख स्थान आसा. हाका साक्स मनशा संसकृतिचें पाळणें जावन न्हंयांनी खेळचो पात्र. युपरेटीस–टैग्रीस न्हंयां पासळेंत मेसपटोमियन संसकृती वाडली. नैल न्हंयचे तडीर इजिप्ताची संस्कृती फुल्ली आनी आमच्या भारताची मुळावी सिंधू नागरीकता सिंधू न्हंयचे बगलेन पासारली.

आमका भारतीयांक न्हंयो जिणियेचो प्रमूख वांटो. उत्तरांत सिंधू, गंगा, यमुना, ब्रम्हपुत्रा. मदगात नर्मदा, तपती आनी दक्षिणाक कृष्णा, कावेरी, गोदावरी न्हंयो दरबारान व्हाळून आसात. ह्यो न्हय आसता भारत मातेचे पासळेंत ल्हान व्हड अशें सबार न्हंयो थंड खेळतात.

न्हंयां द्वारीं मनशा जिणियेक गर्जेच्यो हजारों संगती लाबतात. मासळी खांवच्या मनशाक रुचिची मासळी मेळता. नगळी, (काणे) बालचटां, शेतकां, शेवटाळे, तिगूर, माडोंजी, पूरयोल, सांकटेरां, कुरल्यो असल्या मासळ्यांचें नांव काडतानाच थोडींचे जिबेर लाळ गळता. न्हंय देगेर जिवे जिवे रूक पाचवे सोबायेन भरून प्रथवेक रंग भरतात. त्या रुकांनी सुकणीं घर करतात. त्या रुकांचो पाचवो पालो खावन मोनजाती पुडपुडीत जातात. ह्या सुकण्यां सवजांनी मनशाक करचो उपकार वर्तो.

नीज जावन रान वाडच्यांत न्हंयांचो पात्र विशेस. न्हंयचें उदक रानाचे वाडावळीक गर्जेचें. रान ना तर गांव समादानान आसचो ना. गांवच्या लोकाक पिवूंक उदकाची गरज आसा आनी हें उदक न्हंय थावन काडतात. मंगळूर, बेंगळूर, मैसूर तसल्या शेरांनी आता लाकांनी लोक वसती करता. ह्या लाकों लोकांची तान बागोवंक न्हंयो आपली सेवा दितात.

मनीस शहरवासी जाल्ले परीं ताच्या साधनांक चलोवंक वीज सक्तेची गर्ज आसा. न्हंयच्या उदकाक काट मारन त्या उदकाचे व्हाळचे सक्तेक थांबोवन वीज उत्पन्न करचें आमी पळेतात. कर्नाटकांत शिवन समुद्र, लिंगनमक्की असल्या योजनांनी हें काम करन आसात.

मनीस वाडून आयिल्ले परीं ताका प्रकृते विशीं थोडी निर्लक्ष लागल्या. प्रकृतेच्या प्रमुख गांचां विशीं तो गुमान करिना. हाका लागून न्हंयांचो फुडार अपायाचो जाला. गांवचो कचरो, म्हेळें, मेल्ल्या मोनजातींचें मडें न्हंयांक उडोंवचें सवयेचें जालां. हे निमतीं न्हंयांक पिडा लागूंक सुरू जाल्या. थोडया कैगारिकांचें म्हेळें न्हंयांक सोडतात. हे निमतीं न्हंयांचें म्हेळोपण विपरीत जावन न्हंयो मरूंक लागल्यात.

न्हंयो मेल्यार मनशा संसाराक अपाय खंडीत. न्हंयां देगेंतलीं रानां, रानांतले रूक त्या रुकां वयल्या सुकण्यांचो जीव रिसकेर पडता. प्रकृतेंत हरयेक गांचाक विशेस मोल आसा. मनशान तें विसरनाये. आमी पिवचें उदक वीक जायनाशे न्हंयो जिव्यो उरुंक जाय. तें प्रयत्न आमी निरंतर करया.

– अन्नू इजय

परिचय: अन्नू इजय म्हळ्ळे लिकणे नांवाच्या अनील जोनसन कुवेल्लो हाणें बरयिलें हें लेखन प्रकृतिचो तांतल्या तांतून न्हंयांचो महत्व कितें म्हळ्ळें आमका कळयता.

आशय: न्हंयांचें रक्षण करचो ह्या पाठाचो उद्देश.

अभ्यास

I. शब्दाचो अर्थ

पासळेंत = वेंगेंत, कुशींत; पासारली=विसतारली; बगलेन=सर्शीं, लागसर

दरबारान=पदवेन, अधिकारान; थांबून=रावून, आखेर करून

प्रमूख=महत्वाचें, प्रधान, मुखेल; प्रदूशण=म्हेळें, अशुद्ध

विपरीत=अधीक, भोव चड; गांच=शिर्काय, वाडावळ

II. रिती सुवात भर

१. मनशा संसारांत सोभाय भरुंक देवान सबार रितिची _____ केल्या.

२. मनशा जनांगाचे मुळावे उदर्गतेंत न्हंयांक _____ स्थान आसा.

३. मनीस शहरवासी जाल्ले परीं ताच्या साधनांक चलोवंक _____ सक्तेची गरज आसा.

४. मनीस वाडून आयिल्ले परीं ताका प्रकृते विशीं थोडो _____ लागल्या.

५. न्हंयो मेल्यार मनशा संसाराक _____ खंडीत.

III. हे सब्द वाच आनी समजून घे

१. फूलल्ली – बावल्ली　　२. अपार – तत्वार　　३. उरय – काबार कर

४. विसर – उगडास　　५. निरंतर – केदिंच ना

IV. घुस्पडललें वाक्य सार्कें कर

१. न्हंयो भारतीयांक आमका प्रमुख जिणियेचो जावनासात वांटो.

_____

२. मनशाक रुचिची खांवच्या मासळी मेळता मासळी.

_____

३. प्रमुख प्रकृतेच्या लागल्या गांचां विशीं करिना गुमान तो.

_____

४. लिंगनमक्की असल्या शिवनसमुद्र आसात करन योजनांनी हें काम

_____

५. नीज रान वाडच्यांत पात्र जावन विशेस न्हंयांचो.

_____

V. तिकटया भितर दिल्ले सब्द वापरन वाक्य पुर्ती कर

१. रुकांचो पाचवो पालो खावन मोनजाती _____ जातात.
(व्हड, लांब, पुडपुडीत)

२. मनीस वाडून आयिल्ले परीं ताका _____ थोडी निरलक्षा लागल्या.
(मनशांची, मोनजातिंची, प्रकृते विशीं)

३. प्रकृतेंत हरयेक गांचाक आपलेंच विशेस _____ आसा.
(स्थान, मान, मोल)

४. _____ न्हंयचे तडीर इजिप्ताची संसकृती फुल्ली. (नैल, सिंधू, तपती)

५. त्या रुकांनी _____ घर करतात. (सुकणीं, नगळी, कुरल्यो)

VI. एकामेका मेळय

१. युफ्रेट्टीस–टैग्रीस पासळेंत	कृष्णा, कावेरी, गोदावरी न्हंयो	
२. भारताचे दक्षिणेक	मनशाक करचो उपकार वर्तो	
३. सुकण्यां सवजांनी	न्हंयांक उडोंवचें सवयेचें जालां	
४. म्हेळें, मेल्ल्ये मोनजातीचें मडें	न्हंयो जिव्यो उरुंक जाय	
५. उदक वीक जायनाये तर	मेसपटोमियन संस्कृती वाडली	

VII. देकी प्रकार बरय

न्हंय = न्हंयक, न्हंयचें, न्हंय थावन, न्हंय लागीं

रूक = _____

मनीस = _____

देव = _____

सुकणें = _____

VIII. जोडी सब्द बरय:

दाखल्याक: वारें.वादळ गुडे _____

रूक _____ उंदेती _____

पूर्व _____ हेवशीं _____

IX. एका वाक्यान जाप बरय

१. मनशाची जीण संतोसभरीत करच्याक देवान केल्ली व्यवस्था कसली?

_____

२. मनशा जनांगाचे मुळावे उदर्गतेंत न्हंयांक कसलें स्थान आसा?

३. वीज उत्पन्न कशें जाता?

४. रान ना तर कितें जातलें?

५. न्हंयांचो फुडार अपायाचो जाला कित्याक?

६. आमी पियेंवचें उदक वीक जायनाशें आमी कितें करुंक जाय?

X. दोन तीन वाक्यांनी बरय


१. आमच्या भारतांत व्हाळच्यो प्रमूख न्हंयो खंयच्यो?


२. न्हंयां द्वारीं मनशा जिणिये लाबच्यो गरजो कसल्यो?


३. न्हंयांक पिडा लागून मरुंक कितें कारण?

४. न्हंयो मेल्यार मनशाक कित्याक अपाय?

XI. ह्या तीन वर्तुलांनी सांपडल्या न्हंयांक भायर हाडन तांची वळेरी कर.







पाठ – ३
पद्य

वंदे मातरं

X4A3R4



वंदे मातरं वंदे मातरं
हिमालयाच्या त्या दोंग्रांनी
कार्गिलाच्या त्या दोंग्रांनी
पंजाबाच्या रानांनी
काश्मिराच्या खणियांनी
भारताच्या गडिगडिंनी
आकांतवदींक
दांवडायिल्ले शिपाय आमी हिंदुस्थानी
हिंदू मुस्लिम क्रिसतांव सिख आमी

हिंदूस्थानी आमी हिंदूस्थानी
देशा खातीर वावरुंक आशा मनी
देकून फुडें सरतांव धैरान आमी
आवय बापय बायल भुर्गीं भावभयणीं
सगळीं आमका धाडतात उमाळ्यांनी
लिपोवन दुकां दोळ्यां खांचिंनी
पाटीं येतल्यांव तें नेणांत कोणी
भारतीयांनो देशवासिंनो

देशाक समर्पीत आमची जिणी
हजारांनी सोजेरांनी जीव दिला वीरपणी
सर्व आमी देश प्रेमी
भारत आमची मातृभूमी
एक देस एक वेस एक माती
म्हणतात भारताची संस्कृती
हाडूंक सोडिनांत देशांत शांती
गडीर आमी झूजचें कोणा खातीर
समजोन तुमी घेयात जातिवादी
लोकाची भद्रती आमची ाथी
येया तुमी हात हाती
हिंदू मुस्लिम सर्व जाती
एकवटान एका मनान गाव्यां आमी ओं ांती
सर्व आमी भारती
सर्व आमी भारती

–मेलवीन पेरीस

परिचय: हें पद मेलवीन पेरिसाच्या सुवाळो संग्रहांतलें घेतलां. मेलवीन पेरीस कोंकणिंतलो एक महान कवी. कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमी प्रशस्ती ताका लाबल्या.

आशय: जात–धर्म फरक नासतां देशाचें रक्षण करच्या सोजेरांच्या देशप्रेमा विशीं चिंतन करचें ह्या पदाचो उद्देश.

अभ्यास

I. उत्रांचो अर्थ

खणियो = दोंग्रां मदें देंवती जागे

समर्पित = अर्पण केल्लें, मातृभूमी = मांयगांव

II. विरोध अर्थाचे सब्द दी.

दूख x ____ शांती x ____ जीव x ____

दोंगर x ____ फुडें x ____ दाकय x ____

x

III. अन्य वचन रूप दी.

खणी		घर	
तो सोजेर		तो शिपाय	
आवय		जात	

IV. तिक ांतले सब्द विंचून अर्थ बरय.

शाथी – गडी – प्रेमी –

वावर – रान – माता –

V. रिती सुवात भर

१. क समर्पीत आमची जिणी.

२. एकवटान गाव्यां आमी ओं शांती.

३. हिंदू, मुस्लिम, सिख, क्रिसतांव आमी

४. सर्व आमी भारत आमची.

५. एक देस एक वेस

६. हाडूंक सोडिनांत देशांत

VI. एकामेका मेळय

१. शिखर	धैरान
२. खणियो	हिमालयाचे
३. दोंगर	पंजाबाचीं
४. रानां	काश्मिराच्यो
५. लोकाची	कार्गिलाचे
६. फुडें	करतांव भद्रती

VII. सकयल्या सवालांक एका वाक्यान जाप बरय.

१. हिंदू, मुस्लिम सर्व जातिंनी कशें जियेजे?

२. एकवटान एका मनान कितें गाव्यां?

३. आमी सर्व कोण?

४. आकांतवादींक दांवडायिल्लें कोणें?

५. देशांत कितें हाडूंक सोडिनांव?

VIII. कवन पूर्तीं कर

१. एक दीस .....
.....
..... कोणा खातीर
.....

२. लोकांची भद्रती .....
.....
.....
..... ओं शांती

IX. सिखांचो धर्मगुरु : गुरुनानक, धर्म ग्रंथ : ग्रंथ साहीब

क्रिसतांवांचो धर्मगुरु : जेजू, धर्मग्रंथ : बायबल

मुसल्मानांचो धर्मगुरु : पैगंबर महम्मद, धर्मग्रंथ : खुरान

जयनांचो धर्मगुरु : महावीर जयन, धर्मग्रंथ : सबार ग्रंथ, सूत्र आनी उपसूत्र

हिंद्वाचो धर्म रुरु : सबार म्हालगडे ऋषी, धर्मग्रंथ : चार वेद, उपनिषद आनी पुराण

X. पळे, वाच, समज आनी बरय

झूज – झुजचें जेवण – जेंवचें

खाण – न्हाण –

खेळ – वाचप –

शिकप – सोद–

XI. पळे, वाच, समज आनी बरय

दोंगर – दोंग्रांनी

शिखर– शिखरांनी

घर –

खणी –

गडी –

रान –

मंदीर –

सोजेर –

XII. सकयले सब्द वापरन वाक्यां बरय.

१. धैरान

२. समर्पीत

३. भद्रती

XIII घुस्पडल्ललें वाक्य सारके कर.

१. हिंदुस्थानी आमी दांवडायिल्ले शिपायी.

२. धैरान देकून आमी फुडें सरतांव.

३. धाडतात सगळीं उमाळ्यान आमका.

४. सोजेरांनी दिला वीरपणीं जीव हजारांनी.

५. गाव्यां मनान एकवटान ओं शांती आमी एका.

XIV नियोजीत वावर:

सकयल दिल्या विशयांचेर माहेत संग्रह करन एक चाट तयार कर.

१. आमच्या देशांतले राज्य (state) (२८)+७ नांवां बरय.



२. प्रमूख भासो (२२)



३. प्रमूख न्हंयो (१०)



XV आमच्या देशांत विविधतेंत एकवट वा एकता हाडूंक तुजी सलहा सुचना बरय.

१.

२.

३.

४.


५.

पाठ – ४
गद्य

मेल्यांनी रेंव उडयली

V8P4K8

(सकाळिंची हाजरी काडतासताना आदलें दिसा इस्कोलाक येनातल्या दिनेशा लागीं शिक्षक श्री वास्तव विचारता)



शिक्षक : दिनेश काल तूं कित्या खातीर इस्कूलाक आयलो ना?

दिनेश : म्हजी भलायकी बरी नातली.

शिक्षक : कितें जातालें तुका?

सुधाकर: सर, दिनेशाक मेल्यांनी रेंव उडयली खंय.

शिक्षक : कितें? मेल्यांनी रेंव उडयली? व्हयगी दिनेश, सतगी?

दिनेश : सर, सकाळीं पिडे विंचताना, आंगार खोरजी संगीं धाडकां पडूंक सुरू जाली. पांयां थळा थावन मात्याच्या केसां मुळा पर्यांत खोर्जुतालें. तें पळोवन व्हडलीमांयन मेल्यांनी रेंव उडयल्या म्हण सांगलें. त्या खातीर इस्कूलाक येवचाक जालेना.

शिक्षक : तर धाडकां कशीं गेलीं?

दिनेश: व्हडलीमांयन मेल्यांक पयशे काडन दवरले आनी म्हाका हळदी उदकांत न्हाणयलो. सांज जाताना धाडकां ना जालीं.

शिक्षक: भुरग्यांनो, दिनेशाचे व्हडलीमांयन सांगले परीं मेल्यांनी रेंव उडोंवचें म्हण तुमी आयकलां?

भुर्गीं: (थोडीं): व्हय सर, आमीय आयकला.

शिक्षक: भुरग्यांनो, मेल्लीं रेंव उडयतात म्हळळें तें कुरडी पात्येणी. आंगार धाडकां पडचीं वैज्ञानिक थरान सांगचें तर 'एलर्जी' म्हणतात. म्हळ्यार हरेक जिविची कूड जीवकोशांनी जाल्या. जीवकोशांचें मूळ घटक प्रोटीन. हें प्रोटीन चडावत हेर प्रोटिनां संगीं जुळता तर, थोडे प्रोटिनां संगीं प्रतिरोध दाकयत्ता. ताचो परिणाम आंगार धाडकां उबजतात.

शालिनी: सर, कुडींत विशेस बारीक जाल्यार, तोंडाक वकत घाला म्हणतात आनी वकत घाल्लें वोंकयतात म्हणतात न्हयवे?

शिक्षक: व्हय, हीय एक कुर्डी पात्येणी. मनशान खेल्लें खाण चार वरां पर्यांत खाणा पोत्येंत आस्येत. थंय थावन द्रव रुपाचें खाण धाकटे आनकिटे थावन व्हडले आनकिटेक पाशार जाता. जिर्वण जायनातल्लें खाण विसर्जन जाता. थोडे पावटीं, थोडे कारणांक लागून विसर्जन जायना तर चड म्हळ्यार थोडे दीस वा हफ्तो पर्यांत त्या भागांनी ऊरयेत. तशें जाल्यान महिन्यां व वरसा आदीं शेजारयांनी वा दुस्मानांनी खाणा मुखांतर वकत घाला म्हणचें आसा ताका भृमीद म्हणतात.

शालिनी: तर वकत घाल्लें वोंकयलें म्हणतात न्हयवे सर?

शिक्षक: तुमी सार्कें पळयल्यार कळता. चडावत वोंकयतले, पीडेस्ताक ग्लासभर दूद पिवचाक दितात. उपरांत मंत्रिल्या लिंब्याचो रोस दितात. दुदाक लिंब्याचो रोस घाल्यार आंबशें जाता. पोटा भितर दुदाक लिंब्याचो रोस लागतच रासायनीक क्रिया जावन आंबशें जाता. वोंकयतलो खंयच्या तरयी पाल्याचो रोस पिवचाक दिताना वोंकारे येवन खाणा पोत्येंत घेटे जाल्लें दूद भायर येता. आनी वोंकयतलो सांगता, "वरसा आदीं, तुमका जायनातल्या शेजारी व कुटमाच्यान दुदांत, धंयांत वकत घाला, आता घेट जाला, ताका केस फुटोन आयल्यात, वोंकयनातल्लें तर थोडे दिसांनी मरतो" अशें सांगून भियेल्ले व्यक्तीक पात्येशें करता. सबार जण वत्तायेन वोंकयिल्याचो परिणाम जावन मरण पावल्ले दाखले आसात. तशें जाल्यान पिडा आशिल्या वेळार जोकत्या वैद्य कडे तपासणी करका.

भरत : तर कुर्डे पात्येणे वर्वीं अनाहूत जातागी सर?

शिक्षक : थोडया संदर्भांनी कुडीर हिंसा व मरण येंवचें आसता. धरणी पोंदलो हांडो (दुडवाची निधी) सोदचे खातीर मनशा जिवाची बली वा प्राणी बली दिंवची, नवें तळें खोंडचा वेळार मनीस वा प्राणी बली, थोडी पिडा गूण करुंक उज्यान ताप लोकंडा कुडक्यान दागून दवरचें, हांतूं जिवाक अपाय आसता. पावस येंवचे खातीर गाडवाचें, माणक्याचें लग्न, अकालीक मरण पावल्या आंकवारयांच्या आत्माक शांत करचें असल्या कामांत जिवाक अपाय ना तरी दुडवा नश्ट जाता.

वंदना: आमची सर्व आचरणा कुर्डी पात्येणिगी सर?

शिक्षक: बिल्कूल न्हय. सबार आचरणा फाटल्यान वैज्ञानिक चिंतप व तत्व आसता.

पांयांच्यो व्हाण घरा भायर दवरून भितर वचें, घरा दारार सदां शेण झाडचें, अशें केल्यान धूळ, म्हेळें घरा भितर वचना आनी भलायकी भिगडना. तुळसी झाड, पिंपळी रुकाक भोंवाडो काडल्ले वर्वीं पिडा निरोधक सकत वाडता. आम्लजनक चड मापान मेळता. तशें जाल्यान भलायकी बरी ऊरता. अशें सबार दाखले दिवयेत.

शमन: सर, कुर्डी पात्येणी कशी उणी करयेत?

शिक्षक: भुरग्यांनो, शिक्षणा वर्वीं समजणी वाडता. तशें जाल्यान हरयेक व्यक्तीन शिकप जोडचें सांगाताच वैज्ञानिक मनोभाव रुता करुंक जाय. तेदाळा हरेक घडीत विश्लेशण करुंक सक्तांव त्या वर्वीं मन ॥ जिवाची, दुडवाची देस्वाट आडाव्येत.

– श्री जोर्ज केस्तेलिनो

परिचय: हें संभाषण प्रख्यात शिक्षक श्री जोर्ज कास्तेलिनो, नक्रे हाणें बरयलां. तो राष्ट्र प्रशस्ती विजेत शिक्षक.

आशय: कुर्डी पात्येणी सबार काळा थावन मनशा थंय आसल्लें एक वायट चिंतप. शिक्षणाचो अबाव हाका प्रमूख कारण. शिक्षणा वर्वीं आमी कुर्डी पात्येणी कशी पयस करुंक सकतात. म्हळ्ळी समजणी हांगासर आसा.

अभ्यास

I. उत्रांचो अर्थ

भ्रमीद = कल्पन; परिशीलन = परिक्षा; भिगडता = वायट जाता ; देस्वाट = विभाड

II. विरोध सब्द बरय:

पिडेस्त	x		शिकपी	x	
नवें	x		समधान	x	
मरण	x		काजारी	x	

III. अन्यलिंग बरय : दाकल्याक : मांय – बाब

दाक्तेर	–		आब	–	
भुर्गो	–		चलो	–	
शिक्षक	–		व्हडील	–	

IV. अन्य वचन बरय.

१. इस्कूल	–		२. वकत	–	
३. लिंबो	–		४. गाडव	–	
५. माणको	–		६. घर	–	

V. एकामेका मेळय

१. कुर्डी	रोस	
२. आंगार	चिंतप	
३. मेल्यांनी	पात्येणी	
४. वैज्ञानिक	धाडकां	
५. लिंब्याचो	रेंव उडयली	

VI. रिती सुवात भर

१. व्हडली मांयन _____ उदकांत न्हाणयलो.

२. वैज्ञानीक थरान आंगार पडच्या धाडकांक _____ म्हणतात.

३. पोटा भितर दुदाक लिंब्याचो रोस लागतच रासायनीक क्रिया जावन _____ जाता.

४. सबार आचरणा फाटल्यान _____ चिंतप व तत्व आसता.

५. _____ वर्वीं समजणी वाडता.

VII. एका वाक्यान जाप बरय

१. दिनेशाच्या आंगार धाडकां केदाळा पडूंक सुरू जालीं?

२. कुर्डी पात्येणी कशी उणी करयेता ?

३. घरा दारार श्रेणे झाडचे वर्वीं कितें बरेपण लाबता ?

४. शेजारयांनी व दुस्मानांनी खाणा मुखांतर वकत घाला म्हणच्याक कितें म्हणतात?

५. प्रोटीन म्हळ्यार कितें?

VIII. तीन–चार वाक्यांनी जाप बरय

१. आंगार धाडकां उबजूंक वैज्ञानीक कारण कितें?

२. पिडा आयिल्या वेळार जोकत्या वयजां कडे तपासणी करची गरज कित्याक ?

३. तुळसी झाड, पिंपळी रूक घरा दारार आसल्यार कितें बरेपण जाता ?

४. शिक्षण कित्याक भोव गरजेचें?

IX. सकयल दिल्ले सब्द वापरन वाक्य रच :

१. अनाहूत

२. पात्येणी

३. संदर्भ

४. आचरण

५. मूळ

X. सकयल दिल्या चौकटांतलीं अक्षरां विंचून पांच वक्तांच्या झाडांचीं नांवां बरय.

र	कि	तु	रु
स	रा	तें	आ
लो	द	रु	ळी
ह	ळ	स	ज

XI. वावर :

१. थॊड्या कुड्र्या पात्पेणचीं पट्टि कर.

२. तुज्या इस्कूलाच्या कार्य वेळीं कुर्डे पात्येणे वर्वीं जांवचे अनाहून नाटका रूपी प्रदर्शन कर.

३. पांच म्याजीक वळेरी करून तांतू असचें वैज्ञानिक तत्व कितें म्हळळे विशीं चर्चा करा.

XII. हीं उत्रां कोणें कोणाक सांगलीं.

१. म्हजी भलायकी बरी नातल्ली.

२. तर धाडकां कशीं गेलीं?

३. व्हय सर, आमीय आयकला.

४. तर कुर्डे पात्येणी वर्वीं अनाहूत जातागी सर

५. सर, कुर्डी पात्येणी कशी उणी करयेत.


XIII. सब्दां खेळ

१. [ ] चार वरां पर्यांत खाणा पोतियेंत आसता.

२. थोड्या पात्येण्यांनी [ ] ना तरयी दुडवा नष्ट जाता.

३. अकालीक [ ] आंकवार

४. शिक्षणा वर्वीं [ ]



XIV. घुस्पडललें वाक्य सार्कें करन बरय.

१. इस्कोलाक दिनेश येवंक काल तूं कित्या खातीर आयलोना?

२. रेंव मेल्यांनी दिनेशाक उडयिल्ली सर खंय.

३. परिणाम धाडकां ताचो आंगार उबजतात.

४. सर्व आचरणा आमची कुर्डी सर पात्येणिगी?

५. सबार अर्शें दिव्येत दाखले

XV. हीं वाक्या सार्कीं व चूक तें बरय. चूक आसल्यार सार्कीं करन बरय.

१. व्हडलीमांयन म्हाका हून उदकांत न्हाणयलें आनी सांज जाताना धाडकां ना जालीं.

२. आंगार धाडकां पडचीं वैज्ञानीक थरान सांगचें तर "खोरज" म्हणतात.

३. तुळसी झाड, पिंपळी रुकाक पिडा आडांवची सकत आसा.

४. कुर्डी पात्येणी पयस करुंक हरयेक व्यक्तीन शिकप जोडका.

पाठ – ५
पद्य

नमन तुका आवयपणा



नमन तुका ए भागी आवयपणा
आवयक मेळता तसलें भाग तें दुसरे ना
एदोळ कोणच ह्या संसारांत आयलोना शिवाय
मांयच्या गरबा थावन जल्मनासताना.

घोवाक बायल मेळत आन्येक काजार जाल्यार
भावाक भयण मेळत दुसरे जल्मल्यार
पूण आमका कोण आसा एक आवय सांडून गेल्यार
आन्येक ती मेळचिना सगळ्या संसारार.

आवय तिचे कुशींत तुका व्हावोवन घेता
रगत तिचें आटोवन तुका पियेवंक दिता
आवयक तुज्या कोणच लग्ती जांवचिना
आवय ती एकलीच मेळता दुसरी मेळचिना
नमान तुका..... जल्मनासताना,

तूं आंगोलें घालन आसाय गो भयणी ह्या दिसा
आवयपणाचें भाग तुकाय राकून आसा
कापड न्हेसून आंगार, एक दिसा तूं आयतें जा
बेसांव घेवून बरें त्या लग्नाच्या भेसांत.

आवय तूं जा तुजेच मोगाळ आवय बरीं
नितळ दवर ती कूड तुजी मरासरी
फळाक तुज्या केदींच खत तूं लायनाका
नियम चुकून तू भयणी आवय जायनाका
नमन तुका आवयपणा, तूं आसल्यान आज हांव आसां
नमन तुका भागी आवय म्हज्ये.

–विल्फी रेबिंबस

परिचय: विल्फी रेबिंबस ०२–०४–१९४२ वेर, मंगळूरच्या जेप्पुंत जल्मलो. मागदेलीन मेंडोन्सा आनी बापय लेंडलैन रेबिंबस हांच्या पांच भुरग्यां पयकीं निमाणो. ताची पतीण मीना पिंटो आनी भुरगीं वीणा आनी विश्वास. कोंकण कोगूळ म्हण संसारभर कोंकणी लोकांनी वळखूंचो विलफी, कर्नाटकाच्या कोंकणी पदांक 'कोंकणी रूप' दिल्लो कवी. २५०० वयर पदां घडन संगीत बसयिल्लो. विल्फीन ४० पदांच्यो कोवळ्यो, २५ पदांच्यो सी.डी. भायर हाडल्यात, ८ नाटक बरयल्यात, कोंकणी फिल्मांक संगीत दीवन 'तिसरी चीट', मोग आनी मायपास सिनेमांक काणी बरयल्या. मार्च ९, २०१० इस्वेंत तो देवाधीन जालो.

आवयपणाचे व्हडवीके विशीं कवी हे कवितेंत वर्णन करता.

आशय: हरयेकल्याच्या जिवितांत आवय विशिश्ट आनी विशेश पात्र घेता. आवय वर्नीं श्रेष्ठ व्यक्ती आमका ना. ह्या आवयपणाच्या महत्वा विशीं आमका हे कवितेंत आयकूंक मेळताना तर्नाट्या चलियांक जागवणियी कवी दीवंक प्रयत्न करता.

अभ्यास

I. कठिण स्ब्दाचो अर्थ

नमन = उल्लास पाटय, अभिनंदन पाटय
आवयपण = मायपण, सांडून = होगडावन
आयतें जा = तयार जा, लग्न = काजार, खत = म्हेळें
आवयचे कुशींत = आवयच्या गर्भांत

II. विरोद सब्द बरय:

१. आसा	x		२. जल्म	x	
३. मेळता	x		४. आयल्यार	x	
५. घेता	x		६. सांडून	x	

III. अन्यलिंग रूप बरय

१. आवय	–		२. भाव	–	
३. घोव	–		४. माय	–	
५. तो	–				

IV. अन्यवचन बरय.

१. भयण	–		२. भाव	–	
३. आंगलें	–		४. दीस	–	

V. एकाच वाक्यान जाप बरय:

१. आवयक मेळचें भाग खंयचें?

२. कोण सांडून गेल्यार दुसरी मेळचीना म्हण कवी सांगता?

३. आवय आपल्या भुरग्यांक खंयसर व्हावोवन घेता?

४. आवयपणाचें भाग कोणाक फावो जाता?

VI. दिल्ले सब्द वापरन वाक्य कर

आवय

सांडून

आयतें जा



नितळ



VII. हे सब्द वाच, समज आनी बरय:

घेता – दिता; जांवचेंना – मेळचीना; दिसा – आसा;
लायनाका – जायनाका

VIII. रिती सुवात कर

१. नमन तुका ये 

२. मांयच्या  जल्मनासताना.

३. भावाक भयण मेळत दुसरी 

४. आवय तिचे  तुका व्हावोवन घेता.

५. आवय ती एकलीच मेळता दुसरी 

६. बेसांव घेवून बरें त्या  भेसांत.

७. नितळ दवर ती कूड तुजी 

८. नमन तुका भागी  म्हज्या.

IX. सकयल्या सवालांक दोन वा तीन वाक्यांनी जाप बरय:

१. आवय आपल्या भुरग्यां पासत कितें करता?

२. आवय थंय आसचे विशेश गूण खंयचे ?

३. चेडू भुरगे जावन जल्मल्याक कितें राकून आसा म्हण कवी सांगता?

X. 'नमन तुका आवयपणा' कवना थावन तुका पसंद जाल्ले विशय धा वाक्यांनी बरय.

XI. हें पद सांगाता गायन करा.


XII. चडीत वाचप:

१. 'आवय' विशयांत थोडे काणियो आनी लेखनां वाच.

२. विल्फि रेबिंबस हाणें आवय विशयांत चडीत पदां रचल्यांत आसतां तीं येकटांय कर.

पाठ – ६
गद्य

कुद्मल रंगराव



भारतांतू जाती व्यवस्था समाजाचे जीवाळ जाल्या. आमगेले देचंतू मूढनंबिका, अंधश्रद्धा, अस्पृश्यते, जातियता इत्यादी विचारू चलतरी आसा. जाती व्यवस्थेचे कारणान केलव वर्गाचे जीवन असहनीय जावनू आसा. समाजाचे दुसरे लोकतांका तात्सार दृश्टीर पळैतरी आसाची. ते न्हयशी तांगेले शोशण पूर्ण प्रमाणारी चलतरी आसा. हे सामाजीक पिडुगाचे विरोध जावन तात्तवळी मानाधीक लोकांनी जगडलले आसा. ते विशयारी कर्नाटक करावळींत संघर्ष केल्लले जनांत कुद्मल रंगरायाले नांव अग्रपंक्तिरी आसा.

कुद्मल रंगरायाले जनन कासरगोड जिल्लेचे एक भाग जावन आसचे कुद्मल हांगा२९–०६–१८५९ तू जालें. हागेले बापयले नांव देवप्पय्य आनी आवसू श्रीमती गौरी. देवप्पय्य भंडसालेंत एक सावकाराले लेक्कपत्र निर्वहण करन आशिलो. मद्यम वर्गाचेंक आसचे आशा, अपेक्षा नात्तिले सरळ आनी निराडंबर जीवन हो करन आशिलो. हागेले सात जन चेर्डुंवांत रंगराय म्हालगडॊ. रंगरायाक सोळ वरसा प्रायेरिची पित्र वियोग जावन जीवनांत संकश्ट प्रारंभ जालें. हागेलो प्राथमीक विद्याभ्यास कासरगोडांत जावन मुकार्सून शिकचे खातीर हो कोडियालाक गेलो. दुबळपणाचे कारणानी हाका सुर्वेरी शिकूंक साध्य जायनासी हो अध्यापक वृत्तीक मेळो. क्रमेण खासगी जावन मेट्रिक्युलेशन परीक्षा उत्तीर्ण जाता. मुकार्सून सतत परिश्रमान वकालत परिक्षोंत येस जालो. तचे उप्रांत हो अध्यापक वृत्तिदाकून निवृत्त जावन कोडियालाचे जिल्लान्यायालयांत न्यायावादी जालो. हाका सान प्रायेरिची रुक्मिणीचे सांगात व्हार्डीक जाली. ती सरळ सज्जनिकेचे ग्रहिणी आसून जीवनपूर्ती बामणाले समाज कार्याक स्पूर्ती जावन आशिली.

कोडियालांत ब्रह्म समाजाचे शाखो स्थापन कर्ती रंगरायाले भावजी उळ्ळाल रघुनाथय्य प्रभाव आनी निकट संपर्कान हाणे हिंदू धर्मांत आचरणेंत आशिले मूढनंबिका, अंधश्रद्धा, अस्पृश्यता, बाल्य विवाह, जातियता इत्यादी विचाराचे विरुद्ध संघर्श केलें. विधवा विवाह, स्त्री स्वातंत्र्य, देवदासी पद्दत निर्मूल कोरचे खातीर वावर करता. धार्मीक मनोभाव आनी समाज सेवेचे आदर्श पालन कंरुन जीवनपूर्ती ब्रह्म समाजाचे सक्रीय कार्यकर्त जावन आसिलो.

वकील वृतींत रंगराय भारी नांव पावन दुबळेलो वकील म्हणचे अन्वर्थ नांव आशिले. त्या कालाचे सामाजीक व्यवस्थेंत अन्यायाचे विरुद्ध जगोडचे ताकत्त आनी धैर्य दीनदलीत आनी दुरबळे लोकांक ना आशिले. ते संदर्भांत तांका वकालात घेंवचें धैर्य ताणे केलें. एक फ़ावटी दलीत समाजाचे स्त्रीक सवर्णीय व्यक्तिले संपर्कान गुरबिणपण येवून ताणे त्या व्यक्तीन तिगेलो संबंध सोडलो. तेदना रंगरायान दलीत स्त्री तर्फेन वकालत घेवून तिका जीवनांश न्यायलयाचे मुखांतर घेवोन दिलो. ह्या घडूणकेन रंगरायाक सवर्णीय लोकांचो तात्सार आनी बहीश्कार जाल्यारी ताणे त्या कडेक गमन दीना नातले ताचें काम मुकारसिलें. हागेलें वृत्तीनिश्टा, सत्यशीलता, दीन दलीत वर्गा खातीर ताची प्रीत इत्यादी पोळोवन आंग्ल न्यायाधीशांक रंगरायाले वैरी विशेश विश्वास आशिलो. श्रीमंत लोकांचें व्यवहार सोडून ताणे दुरबळे आनी शोशित लोका खातीर तागेलें जीवन समर्पण केलें.

जीवानांत जाल्ले आकस्मीक घटना रंगरायाले व्यक्तित्व बदल जावचेक कारण कोडियाला वेलेन्सिया लागी अस्पृश्य जनांगाक विद्याभ्यास खातीर एक इस्कूल प्रारंभ करून आसताची. चेर्डुंवाक जेवणा व्यवस्थायी करून आसताची. जाल्यारी, हांक शिकोवच्याक कोणय शिक्षक मुखार यानाची. त्या संदर्भांतू किन्निगोळी गांवच्यो रेबेल्लोक अद्यापक जावन नेमक केलो. त्या कालांत बेंदूरू बाबय्य मळ्ळो व्यक्ती हेची श्शाळेंत आसून रंगरायाचे न्यायालयांत पेदे कामक अर्जी घालन आसता. तेदनाचे आंग्ल न्यायाधीशान बेंदूरू बाबूक पेदे कामाक नेमक करचे आज्ञा दिली. विचार कळिताक येवन उच्चच्च जातिचे वकीलानी विरोध केलें. तेची संदर्भारी न्यायाधीशाक बदल कडेक वर्ग जावचो आदेश येत्ता. न्यायाधीश संधिगदाक शिरकून आसताना ताणे रंगरायाक ही गजाल सांगली आनी रंगरायाक शोशीत वर्गाचे उदरगतीक चिंतन करूंक सांग्ता. ह्या विचारान हागेले जीवनाचेर खूब प्रभाव पडता. रंगरायान मुकार्सून वकीली वृत्तीक तिलांजली दीवन समाज चिकत्सक जावन काम करता. मनुश्य मनुश्याले मधींत आडयेवचे ह्या सामाजीक व्यवस्थे विरुद्ध संघर्श आरंभ करुन तागेले पूर्ती जीवन ह्या कामाक अर्पीत करता.

१९ शतमानाचे अंत्य कालांत रंगरायाले समाज सेवा कार्य प्रारंभ जालें. त्या वेळार दलीत वर्गांक सवर्णीयान वच्चेश्काळेक वचपाक, नाशिले, तांका स्पर्श करूक, सार्वजनीक

बांयी, तळयेंत उदक काडूक, होटेल प्रवेश निशिद्ध आशिलें. ह्या संधिग्ध परिस्थींत हागेले समाज सुधारणा अभियान प्रारंभ जालो. दलित जनांगाचे उदरगतीक ताणे सामाजीक, आर्थीक, शैक्षणीक योजना रूप केलें. हो उद्दश प्राप्त करुंक ताणे प्राथमीक शाळा आनी आश्रम व्यवस्था प्रारंभ केलो. रंगरायान दलीत जनांगाचे उद्धाराक प्रारंभ केल्लो संस्थो हे रितीर आसात.

१. ऊर्व/चिलिंबी प्राथमीक शाळा

२. कंकनाडी प्राथमीक शाळा

३. बोळूरू प्राथमीक शाळा

४. शॅडिगुड्डॅ प्राथमीक शाळा

५. शॅडिगुड्डॅ कैगारीक तरबेत शाळा

६. स्त्रीयांक वसती घर

७. दी डिपरेस्सड क्लास मिशन कोडियाल बैल

हीं सगट कामाक ताणे स्वताची आसती, दान रूपार आयिलॅ भूमी इत्यादी दलित वर्गांच्याक घर बांदचे खातीर, कृषी आनी ऊप वृत्त्यो चलोचे खातीर वितरण केलीं. कोडियाल, उडपी, पुत्तूर इत्यादी गांवाचे भुंयतणेर कालोनी प्रारंभ केले. ती भुमी हागेले पूर्वानुमती नाशी विकचे तशी ना म्हण शर्त गालो. आध्यात्मचें तांक जाग्रती करचे खातीर कोडियालाचे कापिकाड कालोनींत स्टार हॉल म्हणचे नामांकित सुंदर प्रार्थना मंदिर निर्माण केलें. थंय तांका भजन, पूजन, प्रार्थन करूक अवकास दिलो. हागेले सतत प्रयत्न हळू जावन अस्पृश्य जनांगान नागरीक समाजाचे रीती रिवाज, आचार–विचार शिकचेक आरंभ केलो.

जीवनाचे अंतिम चरणांतू रंगरय ब्रह्मसमाजाचे कार्यावळींत सक्रीय जावन 1924 इस्वेंत स्वामी श्रद्धानंदालागी सन्यास स्वीकार करूका म्हण चिंतन करतना त्या स्वामी आकस्मीत अंत्य पावताची. मुकार्सून हो तांगेले शिश्य जावन सुविचारानंद स्वामी लागी सन्यास स्वीकार केलो आनी पंडीत धर्म देव विद्या वाचस्पतीन हाका स्वामी ईश्वरानंद म्हण नामकरण केलें. ब्रिटीश सर्कारान दिल्लो राव साहेब बिरूद ताणे होमांत घालन संपूर्ण विरागी जालो.

अंत्य कालारी सन्यासी जावन दीक्षे घेतलरयी हागेले मन दीन आनी दलितोद्धार कडेन आशिले. ताची भलायकी बरे नासतना ताणे मरणाचे उप्रांत आपण्यालें मडें दलीत जनांगांचे निकृश्ट जाती जाडमालीयान काडका म्हण विलुनामेंत तागेले अंतीम इच्छा प्रगट केली. 1928 इस्वी जनवरी ३० तारीकेक हागेले देहांत्य जालें. सवर्णीयांले विरोद आसलेरियी

हागेले इच्छे प्रकार हागेले प्रार्थीव शरीर जाडमाली आनी दुसरे दलीत जनांगाची कांधो दीवन भजन, मौन प्रार्थना आनी भारी मेरवणीगे मुखेन ब्रह्म समाज मंदिराचे स्मशानाक वरुन अंतीम संस्कार केलो.

संग्रह: अकाडेमी प्रकटण; २०व्या शेकडयाचे म्हान मनीस ग्रंथ

आशय: समानतेन भरल्ली समाज रूपीत करच्याक, तशेंच भद्र देश रूपीत करच्याक वावूरलल्याची वळख दिंवचो ह्या पाठाचो उद्देश.

अभ्यास

I. उत्रांचो अर्थ

पुरातन=आदलो/आदली/आदलें; जीवाळ=मूळ; बाप्पयी=बापूय

आवसू=आवय; भरपूर=चड तिलांजली=अंत करप, आकेर करप

परिवर्तन=बदलप; पेटैलां=धाडलां

II. विरोद सब्द बरय

१. दुरबळो x ; २. उच्छ x

३. स्पर्श x ; ५. चिंत x

III. एक सब्द वा वाक्यान जवाब बरय

१. रंगरायालें जनन केदनां जाल्लें? तार्चीं आवय बापय कोण?

२. कोडियाळांत ब्रह्म समाजाचे शाखे स्थापन केल्ले कोणें ?

३. रंगराय खंयचे वृत्तीन नांव व्हरुंक पावलो?

४. ताणें कित्याक इसकोलां आनी आश्रमां स्थापन करचो निर्धार घेतलो?

IV. ४ वा ५ वाक्यांनी जवाब बरय

१. रंगरायाचें ल्हानपणाचें जिवीत आनी शिकपा विशीं विवर दिया

२. रंगराय ब्रह्मसमाजाचो एक सक्रीय कार्यकर्त कसो?

३. अस्पर य जनांगाच्या शिकपा खातीर रंगारायाची सेवा कशी आसल्ली? विवर दिया

४. शोशित वर्गाचेर कृषी आनी वसती निर्माण योजना खातीर रंगरायान कितें केल्लें?

५. रंगरायाच्या सन्यास स्वीकार संदर्भा विशीं विवरण दिया.

V. हे सब्द वापरन वाक्य रचन कर

१. विचार

२. जीवन

३. प्राय

४. परिवर्तन

५. निर्धार

VI. रिती सुवात भर

१. रंगरायानी जन्म आयिले गांवू ☐

२. रंगरायाले धर्मपलिलें नांव ☐

३. ☐ शतमानाचे अंत्य कालाय रंगरायाले समाज सेवा आरंभ जाल्लें.

४. दलितांगेले उद्दार खातीर हाणें आरंभ केल्ले संस्थे ☐

५. हांका सन्यास दीक्षा दिल्लो ☐

VII. सकयल दिल्या वाक्यांत नामपद सोदून काडन तांचे वर्ग कळय

१. रंगरायू वकील जाल्लो

२. कुद्मल गांवांत तो जल्मलो

३. दलिताले उद्दार खातीर ते वावूरले

VIII. देकी प्रकार बरय, रमेश – रमेशाक, रमेशान, रमेशाचें

१. राम –

२. पुस्तक –

३. रंगराव –

IX. शतमानाच्या दलितांच्या शोषणान भरयल्या जिवना विशीं १० वाक्यांनी विवर दी.

X. जात व्यवस्था विरोद करन तुज्या इश्टाक एक पत्र बरय.

XI. वाक्यांत ६ रिती आसात, समजून घे.

१. विधानार्थक वाक्यां (indicative)

कसलीय गजाल व्हय (affirmative): तो फाल्यां येता

वा न्हय (negative) म्हणूंक: तो येवंक ना

२. संकेतार्थक वाक्यां (symbolic sentence):

शर्तां समेत आसतात तीं वाक्यां : तो सत सांगीत तर भोगशीतां

३. प्रश्नी वाक्यां (interrogative):

सवाल विचारचीं वाक्यां: जेवण जालें?

४. आज्ञार्थी वाक्यां (imperative):

फर्माण दिंवचीं वाक्यां: उदक हाड

५. विद्यर्थ वाक्यां (advisory):

बूद सांगचीं: तूं बरो जा

६. उद्गार वाचक (exclamatory):

अब्बा देवा! हा कितलें सोभीत!

पाठ – ७
गद्य

एक कप हुनुनी कोफी

W9H9Q4



आता रांदपाच्या कुडाक वचका म्हळ्ळीं तिचीं चिंता आनी घरांत ते वेळीं कोणय नातल्लीं. पूण तिका अवश्य जावन एक प्यालो हुनोनी कोफी जाय आसल्ली.

"एक कप हुनुनी कोफी" आशें तीणें म्हळ्ळें तर तिचो पूत खूश जातो असल्लो म्हण आटोवन तिचीं म्हातारीं हाडां कटकटलीं आनी तिचें पोट ते कापियेच्या घोटाक लालेलें.

"हें करुक एक आधुनीक रांदपा कूड बांदका आसिलें. एक स्वीच दांब, एक फिर्की घुंवडाय" आता हे सर्व तिणेंच करुंक आसलें.

पावस!

आखरेक तरयी पावस आयिल्लो. थंड थंड वारें. पावसाक ती वळकाताली पूण तिच्या पुतान बांदलल्या घरांत हो तिचो पयलो पावसाळ. तीणें कितेंय चिंतचे फुडेंच तिच्या पुताच्या उन्नां याद आयलो. "हें आमचें नवें बिडार" तो म्हणालो, बिडार कांक्रिटाचें.

आसल्या पावसाचे सबार दोनपारांनी तीणें खूब प्याले (तांबलेर) काफी सेवल्ली. तावळ तिचो दादलो जीवंत आसलो. कारबारी मनीस, तिचो दादलो, तेग पूत ताणें तिका दिल्ले. पयलो बेवस्तपणांत खिरोन आळवलो. दुसरो बस्स अवघडांत चेंचून गेलो. हीं दोन मरण तिच्या दादल्याक सांगाती करून व्हरून गेलीं. तिच्या वांट्याक ऊरलो तिचो तीसरो पूत आनी तिचें मातियेच्या वणतीचे बिडार.

आनी तावळ तीणें लगाम आपणाचे हातीं घेतलो. हेर उपाव नातल्लो. पूण धांव जावनासल्ली इतली तेज. त्या एका दिसा तिचो तीसरो पूत येवन आपूण खंयच्या एका

गल्फ राष्ट्राक वतां म्हण तिका कळयताना तीणें दोळे उगते केले. “आनी मुखार मातियेच्यो वणती नांत!” तो म्हणालो, गायरांक, बोकड्यांक आनी दुकरांक पोसचेंय ना. आमच्या सपणांचें घर आमी बांदतले!”

पूण तीणें कसलींच सपणां पोळोवंक नातलीं.

आनी तो, तिचो तीसरो चलो.

लाकडांची रांदण आनी मातियेचें घर मात्र तिचे संगीं ऊरलें. तिका ताचीं पत्रां येतालीं आनी ती कोवेंताचे एक्ये पाद्री मुखांतर जवाब लिखताली. ह्या कोवेंताक सहज जावन तिचो तीसरो चलो धाराळ दान दितालो. तिचे फिर्गजेचो विगारयी, तीणें शेंबरांचो नोट डब्यांत गळयल्ल्या आयतारा थावन तिचेर मोवाळळो. व्हय, तिचें आगण तयार जातालें.

उपरांत आयली तिची सून.

सोबायेची पुतळी. आफीसांत काम करची, खडप आनी सांगाताच सुंदर, मातियेच्या बिडारांत रिग्ताना सुनेन वोंठ वोळायल्ले. आनी तावळ तीसरो म्हणालो. एक पावटीं आमचें बिडार उबें जाल्लेंच ह्यो मातियेच्यो वणती आमी काडयां आनी सांगाताच सर्व आदले कोडू उगडास! तीणें कायींच म्हळळें ना.

उपरांत आयलें तें कोंक्रिटिचें राकोस बांदप, बांदपाच्या कामाचो आवाज निवताना, धूळ बसून येताना थोड्या घडियांचें अस्थीर मौन थंयसर उदेलें. थोड्या घडियांचें आस्थीर मौन, उपरांत आयले थोडे आसकत आवाज. तिचें मातियेचें बिडार “ते” धर्णी समा करताले. हाची धूळयी बसून येताना तिचो तीसरो तिका दिसलो, अवशेशां मदें हर्देर हात बांदून उबो आसचो. ताची दीश्ट सर्गाक उन्नून पळेताली. जयत आनी घमंड ताच्या मुखमळार राज करतालें.

आता तिका ती कोफी जाय आसली.

रांदपाचें कूड निजायकी सर्व वस्तुंनी भरल्लें. थोडें खतकतें उदक, एक चमच इनस्टेंट कोफी, दूद आनी साकर. तोपलें तिका मेळळें आनी तीणें उदक भरलें. लाकडांची रांदणी थंयसर नातल्ली बगर फळफळीत कुकिंग रेंज, उज्याची सर्व सकत त्या तांब्ड्या सिलिंडरांत आसल्ली. तीणें तोपलें कुकिंग रेंजार दवरलें. आनी एक फिर्की घुंवडायली. “एक स्वीच दांब, एक फिर्की घुंवडाय” पुताचीं उत्रां.

पूण काडियां पेट खंय आसा?

तिच्या मातियेच्या घरांत सर्व हातांचे परिदे भितरच आसल्लें. माल्दिसांव पडूं? ती मनांतच बोबाटली. तूं आनी तुजें बिडार. तूं आनी तुजो पयसो, खंय आसल्लें हे सर्व तुजे भाव मिड्यार जाताना आनी तुजो बापय बरफ कर्गल्ले परीं पिगळोन वताना? तिच्या ताळ्यांत चडल्लें कोडू पींत तिका फुगासांवान भरूलागलें. तिका खोंकली आयली.

रांदपाच्या कुडांत कसलिगी विमटी घाण आसल्ली आनी कसलोगी फुस्पुसीत आवाज.

"हांगा हरेक वस्तूक तातांचो जागो आसा!" तिचे सुनेन तिका कळयिल्लें. आनी हर्येक वस्तू त्या जाग्यार आसका! काडियां–पेट खंय आसा? ती विचारचा लागली.

हां! व्हय कोलेजाक वची तिची नात. . . ती सिग्रेट वोडताली, चिमणेच्ये वातीन धुंवरचे परीं धुंवर सोडताली. क टांनी मेटां चडून ती नातिच्या बेड रुमाक पावली. थोडीं मोटवीं सोदनां करतच तिका काडियां–पेटच न्हय सिग्रेटिच्या मुळकाटांनी भरली पीर सयत मेळ्ळी.

तिका जाय आसल्ली फकत ती हुनुनी कोफी.

संद गांटिंच्या दुखेन कश्टांनी मेटां देंवून ती रांदपा कुडाक पावली.

कसली ती हिमटाळी घाण? आनी तो फुस्पुसो आवाज?

नवीं घरांय घाणतात?

आता हांवेंय वोंठ वोळायचें?

हर एकाक तातांचो जागो आसा, सुनेचीं उत्रां तिच्या कानांनी घाजुंक लागलीं.

तर म्हजो जागो खंयसर

हें सर्व हांवे मागल्लें? आसलें?

लाकडांची रांदण.

तीन मरण!!

आनी तिच्या मातियेच्या बिडाराचें ध्वंस,

तीन दृश्यां,

एका पाटल्यान एक.

तीनच हंतांनी तिका तिच्या पाटसा थावन सकला देंवयिल्लीं तीं तीन दृश्यां.

आनी आतांचो तिचो जागो .

मांदून घेवंक असाध्य जाल्लो जागो

माळेयेरसांवन पडूं, ती किळंचली.

माळेयेरसांवन पडूं.

उपरांत,

तिणें काडी पेटयली...

–एडवीन जे.एफ डिसोजा.

परिचय: एडवीन जे. एफ. डी'सोजा, कोंकणीचो नांवाडदीक साहिती. प्रस्तूत सां. लुवीस कोंकणी संस्थेचो कार्याकारी डिरेक्टर. 'हांव जियेतो', 'म्हज्या वोडतांतलो गुलोबे', 'खूरसा पाटलो उज्वाडे', 'म्होंव आनी रगत', ताचीं प्रख्यात पुस्तकां.

आशय: 'आदलें' आनी 'आधुनीक' हांच्या मधलो संघर्ष हे काणियेंत पळोवयेत.

अभ्यास

I. उत्रांचो अर्थ

कटकटलीं–कांपचें　　लालेलें–आशेलें,　　वांदे–कश्ट

फिर्की–नियंत्रक　　काळशेल्लें–मोड घाल्लें　　कारबारी मानाय–कामार

आसचो　　बुळबुळची–खतकती　　आळव्वलो –ना जालो

चेंचून – धाडावन　　तेज – पर्जळ　　ध्वंस – नास

आक्रंदन – बोब,　　किंक्राट माल्दिसांव – शिराप

पिडयार – नास　　पिगळोन – करगून

II. विरोध अर्थाचे सब्द बरय

१. स्थीर x ☐　　२. असकत x ☐

३. सहायक x ☐　　४. आखरेक x ☐

५. हून x ☐　　६. मरण x ☐

III. अन्य लिंग बरय.

तिचीं – ☐　　म्हातारो – ☐

हासली – ☐　　पूत – ☐

पुतळो – ☐　　तिका – ☐

IV. अन्यवचन बरय.

बिडार – ☐　　घर – ☐

कूड – ☐　　मोळब – ☐

लाकूड – ☐　　सपण – ☐

बोकडी – ☐　　काडी – ☐

V. जोकत्या शब्दान वाक्य पुर्ती कर.

१. तिका अवश्य जावन एक _____ हुनुनी काफी जाय आसल्ली.

२. तिच्या पुतान म्हळ्ळें एक स्वीच दांब, एक _____ घुंवडाय.

३. केदळाय _____ मळब.

४. मातियेच्या बिडारांत रिग्ताना सुनेन _____ वोळायिल्ले.

५. रांदपाचें कूड निजायकी _____ भरल्लें.

६. तिच्या मातियेच्या बिडाराचें _____

VI. घुस्पडललें वाक्य सार्कें कर.

१. आखरेक पावस आयिल्लो.

२. दुसरो अवघडांत बस्स चेंचून गेलो.

३. उपरांत तिची आयली सून.

४. क टांनी चडून मेटां ती नातिच्या बेडरुमाक पावली.

५. तिका जाय फकत आसल्ली ती हुनुनी कोफी.

VII. हीं उत्रां कोणें कोणाक सांगलीं?

१. आनी मुखार मातियेच्यो वणती नांत!

२. एक कप हुनुनी कोफी.

३. हें आमचें नवें बिडार

४. एक स्वीच दांब, एक फिर्की घुंवडाय

५. कसलेच वांदे नांत!

VIII. दिल्ले शब्द वापरन अर्थाभरीत वाक्यां बरय.

१. बिडार

२. अवघडां

३. सुंदर

४. दृश्यां

५. आधुनीक

IX. एका वाक्यांत जाप बरय

काळळशेल्लें मोळब
एक कप
सुसज्जित आधुनिक
स्विच दांब
घमंड ताच्या

रांदपा कूड
मुखमळार
फिर्कि घुंव्डय
थंड थंड वारें
हुनुनि कॉफि

X.एका वाक्यांत जाप बरय

१.'एक कप हुनुनी कोफी' ह्या पाठांत कोणाक कोफी जाय आसल्ली?

२. पुतान आवय लागीं कितें म्हळें?

३. दोग पूत कशें मरण पावले?

४.सुनेन केदळा वोंट वोळायल्ले?

५. तोपलें कुक्किंग रेंजार दवरून कितें केलें?

६. संद गांटिंच्या किर्किरिसांवां संगीं मेटां देंवून ती खंयसर गेली?

XI. सकयल्या सवालांक तीन वा चार वाक्यांनी जाप बरय

१. हळळेंतल्या रांदपा कुडा विशीं विवर दी.

२. पूत गल्फ राष्ट्राक गेल्ले निमतीं आवय थंय कसलो परिणाम जालो?

३. आधुनीक रांदपा कुडा विशीं विवर दी.

४."हळळे थावन पेंटेक आयल्ले आवयचे कळवळे" हे विशीं विवर दी.


XII. भाषाभ्यास

विवीध नमुन्याच्या घरां विशयांत धा वाक्यां मिकवनाशें बरय.

पाठ – ८
पद्य

आबरांवचें यज्ञदान

C3P1B3



आबरांव : हाता म्हज्या सांग तूं, आतां कितें कर्शी?
पोसलो न्हय तुंवें, उकललो तुका,
पूण तें खंयचेय आता मुखार हाडनाका;
तुवें ल्हान व्हड केल्ले बोकडेचें पील सयत
कातरताना, मुटी भितर कांपत कोयती;
तर हा! तुज्याच रग्ताक कितें कर्शी? तूं सांग.

इजाक : दादा, तलवार पळेताना कांपतामू आंग;
दोळ्यांक म्हज्या आड बांद, आनी अती जोरान
खिणाभितर उसळाय तकली एकाच मारान

आबरांव : नजो म्हज्यान तडवूंक हांवच मरता पयलों!
(मत चुकून पडता)

इजाक : (बापयक उटोवन)
दादा, घळाय चडयता दूक; मात्यावयलो
दिवस पाडला पावलो–तुज्या मनांत तूं लेक
हर्शें मारताय तसली शेळी म्हणून हांव एक

आबरांव : ये तर, बाळा म्हज्या, बांध्या तुजे हात पांय
(सारियेर चडोवन, दिंबियेर बसोवन इजाकाचे हात फाटल्यान बांदता)
आता सोम्या, पाव तूं! आनी करना घळाय.

इजाक : दादा म्हज्या. दोळ्यांक बांदिनायगी लुगट

नासल्यार आपश्चीच गोमटी हालून, मार कांय चुकत.

आबरांव : (दोळे बांदताना)ल्

उपरांत धांपचे दोळे प्राणभी गेल्या वेळा
म्हजे करना आतांच धांपयतायगी बाळा?

इजाक : आदेवस, दादा तुका, आनी मांयकयी म्हज्या!
सोम्या, ओपसून दितां आत्मो हातांत तुज्या!
(आबरांव उमो दिता)

आबरांव : आदेवस, म्हज्या बाळा! पितृलोकीं तुका
विशेव मेळूं! सोम्या, उतर प्रायेर आमका
हासोवंक आनी रडोवंक दया केल्लो हो बाळ,
नातलोच जाल्यार पुणी भोगत्यांव एकोडें जाळ
आमचे ताबेंत आसता, ताका ल्हान व्हड केलो
दोनयी काळजांचो मोग ताचेर एकल्यार दाळ्ळो
सगळें प्रयत्न केलें आमका तांकता तशें
ताच्या दोळ्यांत, कांय वायट रिगनाशें;
आता तुजें देणें, साबीत, म्हेळयनासता
म्हजो हात हांव उकलून, तुका ओपसून दिता
(तलवार मारुंक जोकता. तक्षण देवदुताचो ताळो आयकता)

देवदूत : आबरांव आबरांव

आबरांव: ... अबळे हाजर

देव दूत: उबारनाका चेरक्याचेर तुजो हात; नाका नाका आपडूंक...
जाणां सोमियाक भियेताय म्हण तूं; आनी करुंक
न्हय म्हण पाटीं तुवें तुज्या एकल्याच पुत्राक

आबरांव : आपडना हांव ताका; पाळो दिता उत्रांक;
आनंद जांवदी तुका, काकुळतिच्या राया
तुका खालतें जाल्यांक केदी तुजी दया!
(पाटीं पळोवन)
शेळी खंयची हांगा?

इजाक : दादा, कित्याक घळाय!

आबरांव: तुका मारना–बा, आज तूं बचाव जाला
(दोळ्यांचें आनी हातांचें सोडोवंक वता)

इजाक : बचाव! कशें? सांग तूं, दादा, म्हाका व्हयगी?
आबरांव: आता देवदूत उलयताना आयकूंक नायगी?
इजाक : भिवून थर्थरून हांव समा मतीर नासल्लों
आबरांव: मारचें नाका म्हणून भोडवो नपंयच जालो;
पाटीं पळेताना, अबळे! बोकडेचें पील!
सोमी कितलो बरो पळे–इतली तपशील तयार कर्ची म्हळ्यार
इजाक : तर, आज पयलीं अर्गां
सगळ्या आमच्या काळजान दिव्यां आमी सर्गा
मागीर म्हाका वर्गीं पाटीं घरा वचून
मांयक ही खबर सांगूंक आसा उसक्यार बसून;
आबरांव: पयली शेळी हाड–बा, दडबडता ती बोल्यांत
तितले भितर तयार करता उजो पेटोवंक
(आयदनांतलो उजो फुंकता)
इजाक : (शेळियेक पोटलून धरन हाडताना)
ये तूं सुंदर शेळिये, म्हज्या बदलाक भेटोवंक
सोम्यान तुका धाडल्या; तूं जावनासाय भागी!
बोब मारनाका...इल्लिशी दूक काबार वर्गीं
आबरांव: उजो चिके पळे...शेळियेचे पांय बांदता
इजाक : तलवार पुणी काडनाका बागून आसता

– लुवीस मस्करेन्हस

परिचय: वरकवी लुवीस मस्करेन्हसान लिकलल्या कोंकणी महाकाव्य आबरांवचें यज्ञदान महाकाव्या थावन हो वांटो घेतला. लुवीस मस्करेनस 13-2-1887 इस्वेंत मंगळूरच्या बिजंयत जल्मलो. १९१२ इस्वेंत कोंकणी दिर्वे म्हळ्ळें पयलें कोंकणी म्हयनाळें ताणें सुरू केल्लें. अबरांवचें याज्ञ दान ताचें काव्य रूपक, एवलिनाचें निर्मोणें 'चारलिचो कुस्वार' ताच्यो मोटवो काणियो संग्रह प्रगट जाल्यात. 23-7-1961 इस्वेंत तो अंतरलो.

आशय: देवाचे भक्त, त्याग आनी बलिदानाचे शेगूण ह्या महाकाव्यांत पळोव्येत.

अभ्यास

I. उत्रांचो अर्थ.

दादा=बापायक उलो करचो एक सब्द; खीण=क्षण, घळाय, कळाव
शेळी=बोकर्याचें पील सारी=मडें हुल्पावंक दाळल्लीं लाकडां

पाव=बचाव कर आदेवस=विदाय

दिंबी=दोंपरां बागावन उबे रावल्ली स्थिती

जाळ=दूक ताबेंत=संरक्षणेंत

साबीत= ाबीत, सुरक्षीत अबळे=पळे, देक

काकूळत=बिर्मत, दया, चुचुरे

बचाव=सांबाळ, सालवार भोडवो=देवदूत

तप ाील=पूर्ती विवर अर्गां=धन्यवाद, उपकार आटोवणी

बोलें=झाडकूट, झिल्कूट काबार=आखेर, सोंपणी

पाडला=सूर्य बुडची दीक, अस्तम, पश्चीम लेक=मांद, गुमान कर, समज

दिवस पाडला पावलो=दीस वा सूयी बुडलो, काळक जालो

II. विरोध अर्थाचीं रुपां बरय.

१. मुखार x ____ २. मर x ____

३. जाणा x ____ ५. ल्हान x ____

६. मोग x ____ ७. न्हय x ____

III. स्त्रीलिंग रुपां बरय.

१. राय – ____ २. सोमी – ____

३. पूत – ____ ४. बापूय – ____

५. बोकडो – ____

IV. एका वाक्यांत जाप बरय

१. इजाक बापाय लागीं दोळ्यांक लुगट बांदूंक कित्याक सांगता?

____

२. आबरावंक खंयचे प्रायेर इजाक जल्मल्लो?

____

३. घळाय कितें चडयता?

____

४. आबरांव तलवार मारुंक जोक्ता कितें जाता?

____

५. देवदूत उलयताना इजाकाक कित्याक आयकूंक ना?

V. दोन–तीन वाक्यांनी जाप बरय.

१. आवय–बापायन इजाकाक कसो पोसल्लो?

२. देवदूत आबरांवा लागीं कितें सांगता?

३. इजाकाक बचाव केल्याक आबरांव देवाक कशीं अर्गां दिता?

४. भोडवान सांगली उत्रां आयकून इजाक संतोसान बापाय लागीं कितें म्हणता?

५. इजाक शेळियेक पोटलून धरून कितें म्हणता?

VI. रिती सुवात भर.

१. तुका खालतें जाल्यांक केदी तुजी _____

२. दादा म्हज्या दोळ्यांक बांदिनायगी _____

३. दादा _____ पळेताना कांपतामू आंग.

४. पितृलोकीं तुका _____ मेळूं!

५. दोनयी काळजांचो _____ ताचेर दाळ्ळो.

VII. हीं उत्रां कोणें कोणाक सांगल्लीं?

१. न्हजो म्हज्यान तडवूंक हांवच मरता पयलों!

२. उबारनाका चेरक्याचेर तुजो हात

३. दादा, घळाय चडयता दूक

४. आनंद जांवदी तुका, काकुळतिच्या राया

५. सोम्या, ओपसून दितां आत्मो हातांत तुज्या!

VIII. हे सब्द वाक्यांनी वापर

१. ल्हान–व्हड कर



२. तकली उसळाय



३. नपंयच जा



४. पोटलून धर



IX. दिल्ले देकी प्रकार सकयल्या स्त्रीलिंग नामांचीं सामान्यरुपां बरय

शेळी–शेळिये १. दिंबी – [ ] २. सारी – [ ]

X. सकयल्या सब्दांतलीं नामां, सर्वनामां, विशेशण आनी क्रियाविशेशणांची विविंगड वळे तयार कर मागीर, बरो, देवदूत, मुखार, तूं, वेगीं, सुंदर, आमी, आनंद, हांव, तलवार, खिणाभितर, पील, जोरान, आतांच, ती, उपरांत, भयान, हात, भागी, चिके, गोमटी

XI. व्याकरण

उदगारः सकयलीं वाक्यां वाच.

तर हा! तुज्याच रगताक कितें करशी?

अबळे! बोकडेचें पील!

ह्या वाक्यांतले हा! अबळे! इत्यादी शब्द उदगार जावनासात.

XII. सकयल्या पंगतीचो अथ्च तुमच्या उत्रांनी बरय

तुज्या मनांत तूं लेक

हर्शें मारताय तसली शेळी म्हणून हांव एक


XIII. वावर : आबरांवचें यज्ञदान काव्य नाटक तुमचे शाळेच्या वार्शिकोत्सवा वेळीं खेळोवन दाकया

XIV. आबरांवचें यज्ञदान काव्य नाटक वाच.

XV. लुवीस मस्करेन्हसाची जीवन चरित्रा 'विसाव्या शेकडाचे कोंकणी म्हान मनीस' हांतली वाच.

पाठ – ९
गद्य

सलवणेची जीक



आवयक आपल्या पुताक, सावकाराक आपलें दिवी बाकी आसल्याक, सागोळेगाराक आपले हरियाळी गादे पळोवन कितलो संतोस जातागी, तेच पर्माणें बाबा भारतीक आपल्या घोडयाक पळोवन संतोस जालो. भजन कीर्तनां उपरांत ऊरचो वेळ आपल्या घोड्याक समर्पित जातालो. हो घोडो सोबित आनी बळिश्ट आसल्लो. असलो घोडो त्या सुत्तुरांत नातल्लो म्हणयेत. बाबा भारती ताका 'सुल्तान' म्हण आपयतालो. आपल्या हातांनी ताका खावयतालो. ताका पळोवन संतोस पावतालो. आपले सर्व ताणें त्याग केल्लें. तो गांवाच्या भायर एका ल्हान देवळांत रावतालो. भजन, पुजा करतालो. पूण सुल्तान म्हळ्यार ताका जीव. सुल्तान ताचे थावन पयस वचें चिंतूंक परयांत ताका नाका आसल्लें. आपूण सुल्ताना बगार जीव रावूंक सकचो ना म्हळ्ळें अजाप जातालें, थोडे ताचे तमाशे करताले, तरी बाबा भारती हांचें गण्णें करनातल्लो. सांजेच्या वेळार हरएक दीस सुल्ताना वयर बसून आट, धा मयलां 'चक्कर' काडना तर ताका समादान नातल्लें.

खडगसिंह, त्या इलाक्याचो प्रसिद्ध ढाकू जावन आसल्लो. ताचें नांव आयकताना लोक कांपतालो. सुल्तानाचें नांव ताच्या कानांरी पडलें. सुल्तानाक पळोवूंक तो चडपडलो. एक दीस दनपारा, बाबा भारती लागीं पावलो. नमस्कार करन ताचे मुखार बस्लो.

बाबा भारती विचारता "खडगसिंह, तूं कसो आसा?"

खडगसिंहान मान बागावन जाप दिली तुमची दया.

सांग, हेवशीन कितें पावलोय?

सुल्तानाची आशा वोडन हाडन आयल्ली.

विचित्र जानवार, पळेल्यार संतोस पावशी.

हांवेंय ताची तोखणाय मस्त आयकल्या.

ताची चाल तुजें मन आकर्शीत करतलें.

आयकला पळोवंकयी भारी सोभीत आसा खंय.

कितें सांगचें? जो कोणयी ताका एक पावटीं पळेता, ताच्या काळजांत ताचें रूप छापतलें. मस्त दीस थावन मन आसल्लें. आज हांगासर आयला.

बाबा आनी खडगसिंह दोगयी घोडया सर्शीं पावले. बाबा अभिमानान घोडयाक दाकयताना, खडगसिंहान अजापान ताका पळेलें. ताणें हजार घोडे पळेल्ले, पूण असलो मजबूत घोडो ताच्या दोळ्यां मुखार एदोळ येवंक नातल्लो, चिंतुलागलो, "असलो घोडो म्हजे लागीं आसजे आसल्लो. असल्या सादूक ह्या घोड्याची कितें गर्ज?" थोडो वेळ अशेंच वोगी रावलो. ताच्या उपरांत भुर्ग्या भाशेन सांगुलागलो "बाबा हाची चाल पळोवंक ना तर, कितें पळेल्ले बरीं जालें?

बाबा मनीसच न्हयगी? आपणाच्या वस्तुची प्रशंसा दूसऱ्याच्या तोंडा थावन आयकूंक ताचें काळीज अत्रेगलें. घोडयाक भायर हाडलो. ताचे पाटीर मोगान हात घुंवडायलो. एकाच फरा ताच्ये वयर बसून, वाऱ्या वेगान मुखार गेलो. ताची चाल, ताचो वेग पळोवन खडगसिंहाक मसर भोगलो. तो डाकू जावनासल्लो, देकून पसंद जाल्ल्या वस्तुचेर आपणाचो अधिकार समजतालो. ताचे लागीं बळ आसल्लें, मनीस आसल्ले, वतस्ताना म्हणू लागलो "बाबा हो घोडो तुजे लागीं आसूंक हांव सोडचो नां."

बाबा भारती भियलो. रातिची ताका नीद येना जाली. सगळी रात घोडयाक राकूंक ताणें खर्चिली. खडगसिंहाचें ताका भंय दिसूंक लागलें. पूण सबार म्हयने सोंपले तरयी तो अयलोना. बाबा भारती हें आपणाचें सपण आसत कोणा म्हण चिंतुलागलो.

एक दीस सांजेचो वेळ, बाबा भारती सदांचे बरीं, सुल्तानाचे पाटीर बसून भोंवूंक गेल्लो. ताच्या दोळ्यांत पर्जळ, तोंडार संतोस दिसतालो. घोडयाचो रंग, चाल कूड पळोवन भारी 'संभ्रम' तशें भोगतालो. एकाच्याणें एक आवाज आयकालो. ओ बाबा, ह्या गरीबाक आयक.

बिर्मतीन भरल्लो आवाज तो. बाबान घोडो रावयलो, पळेलें, एक पिडेसत रुकाचे सावळेक बसून पिंर्गतालो.

कितें कश्ट तुका?

ताणें हात जोडन म्हळें, बाबा हांव कश्टार आसा. म्हजे वयर दया कर. रामावाला हांगा थावन तीन मांयलां पयस आसा. म्हाका थंयसर वचूंक आसा. म्हाका घोड्यार वयर बसय, देव तुका बरें करतलो."

"थंय तुजो कोण आसा?"

"दुर्गादत्त पंडिताचें नांव तुवें आयकला आसतलें. तो म्हाका भाव लेक्ता. बाबा भारती

घोड्या थावन देंवलो. त्या पिडेस्ताक घोड्यार ताणें बसयलो. आनी लगाम धरून सांगाता चलू लागलो.

पूण एकदम लोटल्ले बरीं ताका भोगलें. लगाम हातांतलें चुकलें, तो 'पिडेस्त घो । वयर नीट बसून, लगाम हाता घेवन, घोड्याक व्हरून वचें पळोवन ताचीं अंतरमळा उडलीं. अजाप, भंय, निराशा आशें सांगाता मेळून एक बोबाट ताच्या तोंडा थावन आयली. तो खडगसिंह म्हण समजूंक ताका वेळ गेलो ना.

थोडो वेळ वागे रावतच बाबा भारतीन बोबाट घालन म्हळें 'चिक्के राब' खडगसिंहान घोडो राबयलो. ताचे गोमटेक हात घुंवडायत म्हणुलागलो.

'बाबा हो घोडो हांव दिंवचोंनां'

'पूण एक संगत आयकून वच'

खडगसिंह राबलो. बाबा भारतीन लागीं येवन ताका पळेलें. हो घोडो आनी तुजो, हाका पाटीं दी म्हण हांव म्हणना. पूण खडगसिंह, तुजे लागीं एक पार्थन करता, ना म्हणनाका, म्हज्या काळजाक दूख जातलें.

"बाबाजी, आज्ञा कर, हांव तुजो गुलाम. घोडो मात्र दिंवचो ना. आनी घोड्याचें नांव काडनाका." "हाचे विशयांत हांव कांय सांगना. म्हजें प्रार्थन कितें म्हळ्यार, ह्या घटना विशयांत कोणा कडेन सांगनाका." खडगसिंहाचें तोंड अज्यापान उगतेंच ऊरलें. ताणें चिंतल्लें हो घोडो घेवन म्हाका धांवजे पडतलें. पूण आता बाबा भारती खुद्द ह्या विशयांत कोणायकी सांगनाका म्हणता. हाचे वर्वीं कितें लाब? खडगसिंहान मस्त चिंतलें, पूण तो समजूंक सकलोना. सलवोन तो विचारूंक लागलो. बाबा, हांतू तुका कसलें भंय?

बाबा भारतीन जाप दिली. लोकांक ह्या घटना विशयांत कळीत जालें तर, कोणी दुबळ्यां वयर विश्वास करिशेनांत.

अशें म्हणून, आपणाक सुल्ताना थंय कसलोय संबंद ना म्हणचे भाशेन तो घुंवलो. बाबा भारती थंय थावन गेलो पूण ताचीं उत्रां खडगसिंहाच्या कानांत प्रतिध्वनीत जावंक लागलीं. तो पिंतता, "कितले उंचले विचार पवित्र चिंतप? ह्या घोडयाचेर ताका जीवच आसल्लो. हाचे बगार आपूण जियेवंक सकचो ना म्हणतालो. कितलेश्यो राती तो निदूंक ना. पुजा करची सोडन हाची सेवा करतालो. पूण आज, ताच्या तोंडार बेजाराय म्हळ्ळीच ना. खाली गरीब जणां विशयांत ताणें चिंतलें. स्वताचो नश्ट ताणें मनशाकुळाच्या नश्टा मुखार कितेंच ना म्हळ्ळें रुजू केलें. हो मनीस न्हय, सांतच सय."

रातिच्या अंधकारांत खडगसिंह बाबा भारतिच्या देवळाक पावलो. चारांय कुशिंनी जाग माग नातल्ली. मळबा वयर नकेत्रां झिळमिळतालीं. गांवचे पेटे भोंकताले. देवळा भितरयी आवाज ना. खडगसिंहान सुल्तानाक सांगाता हाडल्लें. सावकास गोल्याक आयलो. दारवाटो उगतो पडल्लो. थोड्या दिसां आदीं बाबा भारती हांगासर रावून, लाटी हाता घेवन राकवल

करचें ताणें पळेल्लें. पूण आज चोरियेचें भय नातल्लें. खडगसिंह मुखार आयलो. सुल्तानाक आपल्या जाग्यार ताणें बांदलो. आनी सावकास भायर येवन दार्वाटो बंद केलो. ताच्या दोळ्यांनी प्रामाणिकपणाचीं दुखां दिसलीं.

फांत्यार बाबा भारती सदांचे सवये पर्माणें, आपल्या गुडसला भायर अयलो, थंड उदकांत न्हाण जालें. सपणांत चलल्ले भाशेन तो घोड्याक बांदचे कडेन गेलो. पूण घोडो ना म्हळ्ळें चिंतप आयिल्लेंच ताचें मन रडूंक लागलें. पूण घोड्याक सबार थरान आपल्या मालिकाच्या पांयांच्या मेटांचो आवाज समजलो आनी ताणेंय अवाज दिलो. बाबा भारती धांवलोच; घोड्याक पोटलून धरन रडूलागलो. पुता थावन विंगड जाल्लो बापूय, मस्त वरसां उपरांत पुताक मेळून रडचे भाशेन तो सुसकारून रडूलागलो. ताचे पाटीर हात चरयतालो. तोंड थापुडतालो आनी अशें म्हणतालो–हाचे उपरांत दुबळ्यांची मजत करुंक कोणयी पाटीं सरसोना. थोड्या वेळा उपरांत तो भायर आयलो आनी खडगसिंहा रावल्या जाग्यारच ताचीय दुखां गळा लागलीं.

दोगांयच्या दुखांचें मिलन तेच धरणीर जालें.

हिंदी मूळ: सुदर्शन

भाषंतर : जूडी पिंटो

परिचय: श्रीमती जूडी पिंटो ख्यात कोंकणी साहिती आसून प्रस्तूत मंगळूर सां.लुवीस कालेजांत प्राद्यापकी जावन वावूरता.

आशय: पेल्याची वस्त आपणाची करन घेवंक पळोंवचें चूक. अनितिची वाट व, फट मारन पेल्याक धगो दिंवचें केदिंकच बरें न्हय. आसल्यांत संतोस पांवचें; पेल्या थंय बरेपण आसल्यार संतोस पावूंक आमी शिकूंक जाय.

अभ्यास

I. उत्रांचो अर्थ

सुत्तुरांत– वठारांत, भोंवतणीं, मित्रता– सहवास इ टागत,
चक्कर–भोंवडी, चुकून घेंवचें, ढाकू–चोर, चडपडलो– अतुरायेन रावलो.
मान बागावन–गौरव दीवन, अभिमानान, चाल–वर्तन, छाप– मुद्रण,
प्रशंसा–होगळीक.

II. विरोध सब्द बरय

१. बळिश्ट x		२. मोग x	
३. आसा x		४. बस x	
५. दीस x		६. भायर x	
७. वयर x		८. कळीत आसा x	

९. अंधकरांत x ____ १०. धांव x ____

III. ताळ पडशें बरय

१. खड्गसिंह	सुल्तान	
२. घोडो	डाकू	
३. गरीब	पंडित	
४. दुर्गदत्त	रुकाचे सावळेक	

IV. सकयल्या सवालांक एका वाक्यान जाप बरय

१. बाबा भारती आपल्या घोड्याक कशें आपयतालो?

२. रुकाचे सावळेक कोण बसून आसल्लो?

३. गरीबान बाबा भारती लागीं कितें विचारलें?

४. बाबा भारती घोड्याक पोटलून धरन कितें करचा लागलो?

५. एक दीस बाबा भारती सर्शीं कोण आयलो?

V. रिती सुवात भर

१. असलो घोडो त्या ____ ंत नातलो.

२. सांजेच्या वेळार हरएक दीस, सुल्ताना वयर बसून आट धा मयलां ____ काडतालो.

३. आपणाच्या वस्तुची ____ दूसऱ्याच्या तोंडा थावन आयकूंक ताचें काळीज अत्रेगलें.

४. ____ पंडिताचें नांव तुंवें आयकलां आसत्तलें.

५. रातिच्या अंदकारांत खडगसिंह बाबा भारतिच्या ____ क पावलो.

VI. हीं उत्रां कोणें कोणाक सांगलीं?

१. 'सांग, हेवशीन कितें पावलोय?'

२. बाबा, हाची चाल पळोवंक ना तर, कितें पळेल्ले बरीं जालें?

३. "ओ बाबा, ह्या गरीबाक आयक"

